मंथन

1168
Acc. No.
1595
P-7Dev
MIL

मिलिंद हरिश्चंद्र काकोडकार

A1168

मंथन

मिलिंद हरिश्चंद्र काकोडकार

MANTHAN
Milind Harishchandra Kakodkar

मंथन
मिलिंद हरिश्चंद्र काकोडकार
(हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या पयलो चंवर अर्थीक पालव येवजणेखाला छापलां)
वर्स २००७

G, MIL FPO7

उजवाडावपी
मिलिंद हरिश्चंद्र काकोडकार
साई–[illegible] पब्लिकेशन,
हेलेना अपार्टमेंट,
तिसरी माळी,
स्वतंत्र पथ,
वास्को–दि–गामा, गोवा.
पी.को. 403 802
टे. 0832-2517652

[illegible] KONKANI CENTRE LIBRARY

मुखचित्र आनी अक्षर जुळोवणी
मिलिंद हरिश्चंद्र काकोडकार

मोल : Rs. 40.00

1595
P → Dev
MIL

छापपी
इंप्रेशन
10–अे, टुरिश्ट हॉस्टेल
वास्को–दि–गामा, गोवा
पी.को. 403 802.

"दारांत भुकेल्ल्या भिकाऱ्याचो आवांज कानार पडनाफुडें आपणाक वाडिल्लें जेवणाचें ताट ते भिकाऱ्याचे झोळयेंत घालून आपूण उपाशीं रावपी अशी म्हजी म्हान आवय सर्गेस्त **श्रीमती ताराबाय हरिश्चंद्र काकोडकार** हिका हो म्हजो **'मंथन'** कविता झेलो ओंपता."

कविचें मनोगत

'मंथन' हो कविता संग्रह म्हज्या जिवीताचोच एक भाग जावन आसा. खरें म्हळ्यार आमचे घरांत मराठीचें चलन, कारण बापूय मुंबय ल्हानाचो व्हड जाल्लो ताका लागून तो मराठी भाशेकडेन आकर्षित जाल्लो. आवय सावड्ड्याची जी निजाची कोंकणी उलोवपी ताका लागून या भाशेची म्हाका आवड निर्माण जाली आनी तिचीच स्फूर्त घेवन चिंतलें की या भाशेची सेवा करची. काणयो, नाटिका, नाटकां, कविता हांचो म्हाका ल्हानपणासावन छंद आसलो. सुरवेक मराठींतल्यान बरयतालों पूण जेन्ना म्हाका १९७६ वर्सा शिक्षक म्हूण नोकरी मेळ्ळी तेन्ना थंय म्हाका पयलेच खेपे कोंकणी विशय शिकवचो पडलो आनी हांगाच्यानूच कोंकणी भाशेच्या प्रवसाची, सेवेची सुरुवात जाली.

सुरवेक कांय आडखळी आयल्यो पूण आवयकडेन कोंकणीतल्यान उलयिल्ल्या कारणान तशेंच तिच्या मार्गदर्शनांतल्यान तांतूंत थोडो सुदार जालो.

कविता रचप आनी ती गावप हो म्हजो चड आवडीचो छंद आनी ती कविता ते प्रसंगाचेर आपशींच उत्स्फूर्त जावन भायर येताली. सामाजिक, मुक्तछंद, जिणेतल्यो घडणुको, सैम, सौंदर्य अशे विशय एकठांय येवन ह्यो कविता तयार जाल्यो. म्हजी प्रत्येक कविता ही म्हज्या जिणेतलो एक–एक प्रसंग जावन आसा. कांय कवितांचेर समाजांतले घडिल्ल्या घडणुकांचो परीणाम दिसून येता जाल्यार काय कवितानी मोग, दुःख, तिडक, राग, दुस्वास, विरह, आनंद, जैत, भक्ती, अन्याय अश्या भावनांचो मेळ आसा.

'मंथन' कविता संग्रहांतल्यो कविता तुमचेमेरेन पावच्यो अशी म्हजी इच्छा आसली. दिसतालें की म्हजे अणभव, भावना, विचार कवितेंतल्यान तुमचे मेरेन पावच्यो, तेखातीर तीस वर्सां वाट पळोवची पडली पूण हांव चड उपकारी आसा की पयलो चंवर या येवजणेखाला कोकणी अकादमीन म्हजें सपन "मंथन" या रुपांतल्यान तुमचे मेरेन पावोवपाक मजत केली, म्हूण हें सपन साकार जालें. ते खातीर कोंकणी

अकादमिच्या सगळ्या जाळवणदारांचो हांव उपकारी आसा.

'मंथन' हो कविता संग्रह निर्माण जावपाक जरुय कोंकणी अकादमीन मजत केली तरुय म्हाका एक नांव हांगा घेन दिसता तें म्हळ्यार प्राद्यापक श्री नारायण महाले. ताणीच म्हाका म्हज्यो कविता पुस्तकाच्या रुपांतल्यान प्रसिद्ध जावपा खातीर प्रोत्साहन, मार्गदर्शन आनी पुढाकार घेतलो.

म्हज्या 'मंथन' या कविता संग्रहाचें प्रेरणास्थान म्हजी आवय सर्गेस्त श्रीमती ताराबाय हरिश्चंद्र काकोडकार जावन आसा, आनी हो कविता संग्रह तुमच्याच तेंक्यान, आशिर्वादान हांव तो तिका अर्पण करता.

तुमका हो कविता संग्रह मानवतलो अशी आस्त धरतां, देव बरें करुं.

मिलिंद हरिश्चंद्र काकोडकार
वास्को

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001595

'दोन उतरां' इश्टागतीखातीर

मिलिंद कवी जाला हे गजालीची म्हाका खूबच खोशी जाल्या. हांवूय त्याच्या खोशयेत वांटेकार जाता. तो ताचो इश्ट म्हूण. जीवाभावाच्या इश्टागतीक भाशेचे आनी खंयच्याय भाशिक वादाचें बंधन लागना.

मिलिंदाच्या 'मंथन' काव्यझेलाची बरपावळ हावें वाचली. परती–परती वाचली. तो म्हाकाच 'दोन उतरां' बरय म्हणटलो अशें म्हाका मातूय दिसूंक नासले. पूण ताणे म्हाका व्हड धर्मसंकटांत घालो. ही 'दोन उतरां' बरोवन हांवूच म्हजी धर्मसंकटातल्यान सुटका करून घेता.

मिलिंदाची कवितेची जातकुळी गंभीर ना. ती बरीचशी अस्थिर अशी आसा. आयलें ओंठार ते मनमेकळेपणान गायलें अशी ताची कविता. ताच्या कवितेक विशयाचें बंधन ना. शब्दमर्यादेचें बंधन ना. तालासुराची बरी वळख आशिल्लो मनीस मनमेकळेपणान ताची कविता गांवक शकता. मुक्तछंदातल्यो ह्यो कविता.

मिलिंद अंतर्मुख कवी न्हय. मनाक पिडपी विशयाचे मनांतल्या मनांत स्वतःकडेनच मंथन करपाचो यत्न करता. तो कवितेंतल्यांन खूब कितेंतरीं सांगूक सोदता. मन उक्तें–मेकळें करुन भरभरुन सांगता. थोड्याच उतरांनी–वेचींक उतरांनी आशय मांडप ताका मानवना अशें दिसता. तो खूब कितेंतरी सांगूक सोदता तेंय बी खूब उतरांनी.

मिंलिंदाच्या कवितेची तुळा खंयच्याय कवीकडेन जायना आनी तशी ती करप योग्य न्हय.

फाटल्या दोन दशकांत कोंकणी कवितेक बरोच चंवर आयला. गोंयच्या मातयेचो घमघमाट कवितेंतल्यान जाणवता. गावपी गळयाची नादमधुर, तालासुरांची कविता बाकीबाबांनी बरयल्या. गोंयच्या सैमाचें चित्र उबें करपाची तांक बाकीबाबांत दिसून येता. प्रो. मनोहरबाब सरदेसायांनी हळवार उतरांनी गोंयचो मोग उक्तायला. शंकर रामाणींची कविता जिविताकडेन गंभीरतायेन पळयता. पांडुरंग भांगींची कविता अंतर्मुख करता. वेणिमाधव बोरकर रामाणींची परंपरा मुखार व्हरताना दिसता. पुंडलीक नायक हांची कविता गांवगिऱ्या वाठारांतली स्पंदनां नेमकेपणान व्यक्त करता. तर वास्को शाराच्या दुश्टितपणाचें वर्णन प्रकाश पांडगांवकरांच्या 'वास्कोयान' काव्यझेल्यांत दिश्टी पडटा.

मिलिंद कोकणीतल्या म्हालगड्यांच्या वाटेन वचना. ताची वाट स्वतंत्र आडवळणांची लांब पूण स्वतःचीच अशी. मनशाच्या जिवितांतल्या सगळ्या प्रस्नांक ती स्पर्श करता. जसो कवितेचो आशय तशीच उतरां. ताच्या कांय कवितांनी आशय धारदार उतरांनी व्यक्त जाता.

फोडात तकल्यो, मोडात हांडा
घालात वांटे एकमेकांचे
पेटयात मनशा पेडां
करात खतखतें रगताचें ------

विशय खंयचोय आसूं, तो सरळ, सोपेपणान मांडपाची कला ताचेकडेन आसा. मोगाच्यो कविता ताणे बरयल्यात. मोगाची प्रखरताय ताच्या कवितेंत दिश्टी पडटा.

अरे, सैमांतल्या ऋतुंनो
घालात पावस फुलांचो, घालात पावस फुलांचो
आयला आज मोग म्हजो
जागृत जाला मोग म्हजो

'किडिल्लीं मनां' ह्या कवितेंत सामाजीक अवतिकायेचें चित्र दिश्टी पडटा. आयज सामाजीक वा शैक्षणीक मळार जी अवतिकाच दिश्टी पडटा ताचे पडबिंब ह्या कवितेंत आसा.

प्रत्येक आवयबापूय
तयारेक लागता – – –
करपाक भुरग्याक दोतोर, अभियंतो, वकील
पूण भुरग्यांची तांक पळयनासताना
थापतात माथ्यार तांच्या
अन्यायाची वर्जी
आनी
मागीर जातात भुरगीं निराश – – – !

मिलिंद मनशाच्या जिवितांतल्या दुख्खाचें वर्णन करता. दुख्खान तो हुलपता पूण खंत करत बसना. निराश जाता पूण हातपांय गळसावन बसना.

रडटा नशीब आयज
म्हजें जिणेचेर
आनी
हांव बसला नशीबाक घेवन मांडयेचेर

निमणे तो म्हण्टा,
एक फावट, दोन फावट, तीन फावट
आशेची पावणी वाडत वता

मांडयेवेलें नशीब पडत कोणा हातां
'पावतोसांची' वाट पळयत रावता

शब्दचित्र रेखाटन करपाची जबरदस्त तांक मिलिंदा कडेन आसाः एखादया घटनेचें, प्रसंगाचें तो बारीकसारीक वर्णन करता. गांव म्हजो काकोडा, म्हजें सानपण ह्यो कविता हाची गवाय दितात.

'ए बाप्पा' ही कविता सामाजीक परिवर्तनाची झलक दाखयता. बाप्पा हो सामान्य लोकांचो प्रतिनिधी. गोंय मुक्तीउप्रांतच्या काळांत हांगाच्या साताजीक जिणेत जातल्या बदलांचें वर्णन बाप्पाच्या माध्यमातल्यान कवीन केलां. ही कविता म्हळ्यार मध्यमवर्गीयांच्या जिणेचें पडबिंब आसा.

मिलिंद आपणाले शेणलेलें 'सानपण' कवितेंतल्यान सोदता.

'एक बाळक' ही कविता मनशाच्या जल्मप्रक्रियेचो सोद घेता. ही कविता वर्णनात्मक स्वरुपाची आसा. पूण तांतूतल्यान कवीकडेन कवितेखातीर विशय सोदपाचें वेगळेंपण आसा हे दिसून येता. मिलिंद हो तरणाटो कवी. स्वतःच्या वेगळेपणान धोलपाची कला ताचेकडेन आसा.

ताच्या कवितेंत सद्याच्या सामाजीक जिणेतलीं स्पश्ट आनी नितळ पडबिंबा दिसून येतात.

ताच्या कवितेचीं आशयसूत्रां समकालीन वृत्तीप्रवृत्तींतल्यान निर्माण जाल्यांत. समाजांत, दोळ्यांमुखार जे कितें बरेंवायटघडटा तें ताळो फुलोवन तो सांगपाक सोदता. कांय अणभव ताचे स्वतःचेच आसात हातूंत दुबाव ना. ताची कविता म्हणचे अणभवांची आंतरीक अभिव्यक्ती.

वैचारीक कवितेचे आव्हान तो सहजतायेन झेमताना दिश्टी पडटा.

समाजांतल्या नैतीक मुल्यांचो जावपी नाश, मनशाच्या सभावांतली क्षुद्रताय, मनीसपणाची शेणिल्लीं रुपां आनी मुखामळां ताका अस्वस्थ करतात.

मिलिंदान आपल्या 'मंथन' ह्या पयल्याच काव्यझेलान वाचप्यांक खूब कितेंयतरी दिलां. वाचपी ताच्या कवितेचेर आपापल्या परीन मंथन करतले आनी तो आपणालो काव्यप्रवास वेगळे वाटेनूच करतलो हातूंत दुबाव ना.

प्रा. नारायण महाले,
एम. ई. एस. कॉलेज
झुआरीनगर, वास्को,
गोंय.

क्रम	कवितेचें नाव	पान
१	म्हजो मोग	११
२	चान्न्याची रात	१३
३	गांव म्हजो काकोडा	१४
४	मोग	१६
५	काळखांतलें किरण	१८
६	सुवार्थाचें झगडें	१९
७	मोल	२१
८	सत उलयता	२२
९	प्रतिशोध	२४
१०	किडिल्लीं मनां	२६
११	आधार	३०
१२	जिणेची पावणी	३१
१३	सपन तें	३२
१४	दुसरो ?	३४
१५	मरण इत्सा	३६
१६	म्हजें सानपण	३८
१७	सत्य	४१
१८	एक बाळक	४३
१९	म्हजो भाव म्हजो दुस्मान	४५
२०	ए ऽऽ बाप्पा ऽऽ	४८
२१	कावळो खंयचो	५०
२२	मंत्री रे मंत्री	५१
२३	आमचें राज्य	५३
२४	आत्मो आनी हांव	५५
२५	खोंप	५८
२६	भुरगेंपण	६०
२७	दोन हात	६३
२८	जाणात तुमी	६५
२९	कोण तूं	६९
३०	खरें मोल	७२
३१	म्हातारी	७३

३२	म्हजी नायीका	७५
३३	जिणेचें मोल	७७
३४	निर्माल्य उलयता	७९
३५	अंधस्त्रध्दा	८१
३६	कटकट	८२
३७	जेन्ना हावे स्कुटर विकली	८३
३८	शासन	८६
३९	पावसा पावसा	८७
४०	नशा	८८
४१	न्हीद बाळका	९०
४२	देवा रावता हांव	९१
४३	एक फूल	९२
४४	वाट	९३
४५	मोग तुजो	९४
४६	काळजाचो कुडको	९५
४७	पिशें काळीज	९६
४८	व्हडें जिवीताचें	९७
४९	पयली रात	९८
५०	मोगाचें थळ	९९
५१	व्यास्त	१००
५२	खोस	१०१
५३	मनातलें	१०२
५४	उजवाडाचें किर्ण	१०३
५५	सुखाचो दीस	१०४
५६	उजवाड जिवित	१०५
५७	ना जाल्यार	१०६
५८	काळीज कुपां	१०७
५९	दामोदरा देवा	१०८
६०	कर्तुप जाप	१०९
६१	जिवीत मोग	११०
६२	किर्ते घडट्टा	१११
६३	घुस्मटिल्लें जिवीत	११२

म्हजो मोग

अरे सैमांतल्या ऋतुनों
घालात पावस फुलांचो, घालात पावस फुलांचो
आयला आज मोग म्हजो
जागृत जाला मोग म्हजो

उमेदीन जीव थाऱ्यार ना
मन म्हजें जाग्यार ना
कोणाक सांगू कशें सांगू
उतरां तोंडांतल्यान सुटचना

अरे रुखानो, अरे झोपानों
अरे भोंवऱ्यानो, अरे कोगळानो
बंद करात गायन तुमचें
मोगाचे सूर आयकात म्हजे

करता वर्णन तिच्या कातीचें
ओठांवेल्या लालीचें
गोऱ्या हातावेल्या तळटाचेर
तांबड्या रंगयिल्ल्या मेथिचें

कुपां देवल्यांत पावसा तिच्या
दोळ्यांत रुपान काजळाच्या
अशे वेळार भरचो भांग
नकेत्रानी मळबाच्या

खंयची गुलाबी पोल्यार चडल्या
खंयची काजळी केंसार चडल्या
नागावरी भोंवर मारीत
पोटऱ्यार तिच्या आड पडल्यार

मस्तानीचो कंठ तिचो
कस्तुरीचो परमळ तिचो
धूंद सगळी जाली कशी
हीच ती मेनका, रंभा, उर्वशी !

पळोवन म्हाका लजलें जशें
पारजातकाचें फूल झडलें तशें
धप–धप असो आवाज करीत
काळजाक म्हज्या लायलें पिशें

उतरां जशीं सावरे कापूस
वाऱ्यार कशीं उबत रावतात
राग ताचो म्हाका येता
जेन्ना वारो ताका आफुडटा

सोडून हांव कोणाचोच
हक तुजेर आसचो ना
पयलेच खेपे नशीब फळफळ्ळें
मोगाबगर हांव जगचोचना

चान्न्याची रात

चान्न्याच्या रातींत यो
मोगरेची फाती माळून यो,
आकूळ पिकूळ वारो, परमळ घेवन आयलो
तूं म्हज्या वेंगेत यो यो यो

गुलाबाचें रुप तुजे, कांती भांगराची
म्होंवावरी ओठ तुजे, वाणी अमृताची
इंद्रधणुचो भांग तुजो, रेसम केसांचो
काजळ माखी दोळे तुजे, उजवाड नखेत्रांचो

कस्तुरीचो गंध तुजो, येता दर्याक भरती,
मेनकेचें रुप तुजे, सूर्याकय दिपकायती,
तुज्या येण्यान अचकीत, फुलां वालिर फुलती,
पावलां तुजी उखलून, हरयाळी नाजूक धरती

तूंच प्रेरणा म्हजी, तूंच संजिवनीशी
मदनाक पिशें लावपी, देवांक भाळोवपी
जुवानपणाची रात ही, पालय वात तेलाची
नाजूक गोपान घेवन म्हाका, शितळ कर मती म्हजी

गांव म्हजो काकोडा

गांव म्हजो काकोडा, तळ्या देगेर पांचवोचार
भल्ला दोंगरा काजूनी, पणस आंबे माडानी
तांबडी–तांबडी माती हांगाची, भरता फुलां–फळांनी
सुकणी सावजां रानांत हांगा, बोवाळ गोरवा, राखण्यानी

म्हादेव, बेताळ, लिग्म, भवानी, देवस्थना वाड्यावाड्यानी,
मारुती, सिध्द, धानगाडी देव, राखण करता शिमानी
कालो, दसरो, शिगमो, सप्ता, धालो, दिवजां घरांनी,
पिरादेवळांत नमाज जाता, कपेलां भरतात मिसांनी

मारुतिची जात्रा तेन्ना, उरुसाक लोक गांवात येतात,
कपेलाच्या फेस्तावेळार, शिगम्या धोलार बडी पडटा

लिग्मवाडो, सोमुलवाडो, सावंतावाडो, मेस्तांवाडो
भटांवाडो, परबांवाडो, म्हारवाडो, कलवंतावाडो
करमल्यांवाडो, घाडयांवाडो, मुसलमानावाडो, किरिस्तावांवाडो
एकामेकांगेर वचपाचो, शिकल्यात सगळे एकवटा पाढो,

कोण एकलो दुखलो जाल्यार दुसऱ्याक थंय हाय जाता,
इतलो सुंदर शांत गांव, परक्यांची ताका नदर जाता

वायंगण, सर्द हांगाची शेतां, आसात रानां, भाटां, बेसां
माडा बांदांचेर कोगळांगितां, भंवर शेवण्यांचो पिकिल्ल्या शेतां
मिनाचे ट्रक हांगच्यान धांवतात, मीठ–मीठ करुन टेंपो येतात
गांव पार करपी दरएक बस, लोकांनी भरिल्ली दिश्टी पडटा

नाटकां तियात्रां गांवात म्हज्या, सिनेमा थियेटर दिश्टी पडटा,
कलेचो मोगी गांवचो लोक, देवांचेर तांचो भावार्थ आसा

गांवचे जेवण इतलें रुचीक, उकड्या तांदळा शिताचें
ताळखिळो, म्हशींग, आळूं, तेरें, पिट्टोळ, काडडुआं, हुमणांचे
साळचे भाताचे फोव दिवाळेक, चवथी परबेक हळदी पानां,
श्रावणांत घोसाळीं, तवशीं, दूदी, शिवराक जेवणांक केळीं पानां
सगळे म्हाज्या गांवांत पिकता, भुरगी हांगाची शाळेंत वतात
शेता–भाटांत काम करुन, संवसारात ती नांव जोडटात

गांवचो लोक सगळ्याक शिंपडला, बुदवंत, गरीब, पैशेकार,
कलाकार, संगीतकार, नाटककार सांगतात कशे काकोडकार
कश्ट करपी गांवचे गांवकार, गांवाक रुप सर्गीचें
भुकेल्ल्यानी तानेल्ल्यानी, येवन हांगा धादोशी जावचें,
असो हो गांव म्हजो, सगळ्या सुखानी भरिल्लो
सदांच उरचो अज्रंवर, देवानूच तो निर्मिल्लो

मोग

घुस्पला मन मोगांत म्हजें
जुवानपणात आयलां
सरभोंवतणची परमळीत
फुलां पळोवन काचाबूल जालां !
हाका धरुं, ताका गोपांत घेवूं ?
मायपासाचे प्रस्न मनांत
फुगड्यो घालतात
एका परस दुसरें रुप पळोवन
सुवार्थ मनात जागता
सगळ्यांचेच म्हौंव चोखचें
आनी तृप्त जावचें
कोणाचें रुप चंद्राचे तर
कोणा दोळे हरणाचे
कोणाचे दांत दूदा भाशेन
तर कोणा कात गव्हां भाशेन !
तरणे पणाची रसिकताय,
दोळ्यांतली म्हज्या चंचलताय
सथरवथर मन जाता
काळजाचे ठोके जाणवतात
अशेंच आसता हें जुवानपण
जें काळजाक पिशें लायता
मोगाच्या सुप्त नशेंत
दिसतात सगळींच आपलीशीं
अशा वेळार हर खीण भांगरावरी जाता
काळजाची उर्बा शीममेर हुपूंक सोदता
दिव्य अशें संवसारांतले,
अप्रुप अशें जिणेंतले म्हाका लाभता,

आनी त्या उमेदीच्या हुंवारांत
व्हांवत वता, रंगता सपनांच्या राज्यांत !
अचकीत जाग येता
पळयत जाल्यार एकलो एकसुरो
फकत धप धप जावपी काळीज
आनी एकूच वाटेन, विचार करिनासतना
मोगांत पडिलें म्हजें हताश मन !!

काळखातलें किरण

ओले ओले, ओ हो, ओले ओले, ओ हो ऽऽऽ
रातिच्या, काळखांत या,
एक किरण उदेता
सपनांत न्हय, खऱ्यानींच
नशीब म्हजें घेवन येता
ओले ओले ...

निरास कसो हांव जावचो ना,
शरण अपेसाक वच्चो ना,
भिजूड जीण जगचो ना,
अंत जीणे केन्ना करचो ना
ओले ओले ...

म्हजीं सपना मुखार म्हज्या
म्हजे हावेस काळजांत म्हज्या
ना भंय कोणाचो आतां
धायी दिको हातांत म्हज्या
ओले ओले ...

लोखणावरी कूड म्हजी
दोळे म्हजे उज्यावरी
घेता विचार आकार म्हजे
गंध कसो चंदनापरी
ओले ओले ...

सुवार्थाचें झगडें !

फोडात तकल्यो मोडात हाडां,
घालात वांटे एकामेकांचे
पेटयात मनशां पेडां
करात खतखतें रगताचें !
मागीर ?
नाचात भुतानो रगतांत,
थयथय करुन

जिकतलें रे जिकतले,
मसंडीत सगळे पिकतले,
वसाड गांव जातले,
चोरांचे सारकें फावतलें
तेन्ना ?
राज्य जातलें खेत्र्यांचे
बळी वतले भुरग्यांचे
बायलो राण जातल्यो
आलवातिणी गुरवार जातल्यो

मारात बोबो बोंबले देठांतल्यान
करुन व्हडें पोटाचें,
अशेच सगळे मरतले !
दोमकावळयांचे दोळे
उरतले भोंवशाचेर ?

कित्याक हो दोंगर खणप ?
कित्याक हें रगत आटोवप ?
हातूंत सगळो सुवार्थ भल्ला
सुवार्थान हें राज्य चल्लां
जर !!
उरत अशें ! वाळवंट जातलें भांगराचें
मागीर बांदात ताजमहाल
मेल्ल्या मनशां हड्ड्यांचेर
भुतांचो म्हाल म्हूण नामना जातली !

येतले भोंवडेकार भायल्यान,
पळोवपाक ?
रगताचें मैदान !!
वळखतले सगळे !!
पोलिस रावतले राखपाक
वाळवंट जाल्लें
एक भांगराचें राज्य !!!

मोल

खबर एक ती कळ्ळ्या म्हाका
संवसार सोडून तूं गेलां
आयकून मनाक खरें दिसना
तशें जाल्यार हांवच म्हजो सपलां

जर ती खबर सत आसत
उरचेंना कांयच वायटूच जातलें
कणानकण शेणटलो, मळब फुट्टलें
धर्तरेर हुंवार येवन व्हावन वतलें

मळबांतले नवग्रह कडेक सारतलों
सर्गाचें दार फोडून देवांक विचारतलों
म्हजे जिणेचें सूख कित्याक व्हेलें ?
अशें वायट कितें हांवे केलें ?

परत तुवें धर्तरेचेर येवचें पडटलें
म्हजे सुखाचें निर्माण करतलें
हांव हो हांव न्हय, तूंच आसा
तुज्याबगर तें मोल कोणाक आसा ?

सत उलयता ?

हांव कोणाच्या दोळ्यांतलें काजळ न्हय
हांव कोणाच्या काळजांतलो मोग न्हय
देवाच्या पायां पोंदचें फूल न्हय
हांव कोणाच्या दुखांतले सुख न्हय ?
हांव ?
धर्तरेवेलो दुकां हुंवार
धर्तरेवेलो अस्थिर
नखेत्र मळबांतलें तुटलेलें
दिश्ट काडून उडयिल्लें
मीठ चुलितलें
हांव ?
चघळून उडयिल्लें हाड एक
रानांत सोडिल्लें माजरा पील एक
गिदानी चोंचिल्ले मडें एक
मडयांतलो हुळहुळपी रोंटो एक
हांव ?
संवसांरात पोशिल्लें अरिश्ट,
अतृप्त शें मरण !
नरकांत लेगीत सुवात नाशिल्लें
निसणी वयलें मडें,
म्हाका ?
आफुडपाक भियेतात
मेलां ! पूण आत्मो भटकता ?
यम पदरांत घेना,
धर्तरी उदरांत घेना
उजोय आफुडना !
म्हाका ?

उडयलां वाऱ्यार,
सांगाताक नर्क, मूस, दुर्गंध !
सगळ्यानी ओडून ओडून
तिस्त्यान तिस्त्यो जाल्यात
तरिय म्हजो अवतार सपना ?
उपस्थिती सपना !!

प्रतिशोध ?

काळजांतली उतरां काळजांतली उतरां,
ओठारुच निसरलीं !
पूण,
ओठार शेळो नाशिल्लो.
गेलीं तशीं व्हावन.
पूण ?
हुंवार नाशिल्लो.
मारतालीं उलो तुका
करतालीं याद तुजी,
व्हावन वताना !
पूण ?
तें आयकुपाक फुटिल्ले काना पड्डे ?
येतालें तशें आयकूंक
मोन्याचें तुका !
आनी
हांगा फुट्टालो आवाज एका गाढवाचो !
कितलें खोशी तूं ?
पळोवन तें
म्हजे खोशयेन
माल्लो घास जमनीक !
तशें,
मरण उडलें मळबांत
आनी
अडे दुकांचो शिगमो
तुज्या दोळ्यांत नाचतालो.
लोण्याचें काळीज पाषाण जाता !
सूर्या वोतान

अजापता हांव !
तूंच जल्मा घालता,
तूंच मरण दिता ?
पूण आतां जावन सूदर्शनापरी
कर्तुपाच्या तुज्या
प्रतिशोध घेवपाचो आसा !!

किडिल्लीं मनां

परिक्षा जाली परिक्षा जाली
आतां निकाल पळोवया
भोंवया, रस्त्या–रस्त्यानी भीक मागीत,
भुरग्यांच्या प्रवेशा खातीर
अपरी, प्राथमिक, उच्चमाध्यमिक
म्हाविध्यालय,
घेवन प्रमाणपत्रां कट्टेच्या रुपांत
वशिले !
सायबांचे, समाजसुधारकांचे, मंत्र्यांचे,
बऱ्यांचे, वायटाकारांचे,
ना जाल्यार
देवसपणा, जादू, भक्ति, नाम स्मरण,
कोंबो, बोकडो, मोनजाती कापून
नाल्ल, पड, फुलांचो अिबाड करुन
भटाच्या, घाड्याच्या, मांत्रिकाच्या
हाताक चार पैशे लावन,
मातशी
बरी सांगणी करपाक
उपास, तपास, नवंस, गाऱ्हाणी, वचना
शब्दांचो गोल–माल करुन
नाऽऽच जाल्यार
रीण काडून ! भांगर विकून !
विकून कागद पत्रां,
जाग्यांची, घराची, कचरो समजून
नाड बुध्दिन पैशे एकठांय करुन
भ्रष्टाचार करुन
घालून तातूंत पैसो,

'ओवरटायम', पगार, ग्रेट्यूटी
प्रोव्हीडंट फंड, आनी कितें !!
घालून तांच्या भरीक
घेवपाक प्रवेश
उंचेल्या पांवड्याच्या शिक्षणाखातीर
भुरग्यांच्या भविश्या खातीर
ना जाल्यार
आत्महत्या करपाची !
आवय बापायन, वांगडा भुरग्यांनी !
बरे शाळेंत जागे आसात
पूण ?
दूडू जाय !
दूडू नात ?
प्रवेशा खातीर, लायनीत रावात, न्हिदात थंय,
बायल गुरवार जावचे पयली
सुगूर करात जागे
लग्न जावचे पयली राखून दवरात
दोत जशी, दितात तशी !
चलयेच्या लग्नाचो हुंडो जसो
घालात तांच्या मङ्यार आनी
दियात प्रवेश भुरग्यांक
आता पालकानी करपाची तयारी
प्रवेश दिवपाक,
पुताक, नातवाक, पणटुराक,
पिढ्यान पिढ्या, फुडल्या भुरग्यांक !
शाळा उरुं वा पदाधिकारी उरु,
पूण पैशे आगाव दिवन
राखून दवरात जागे
शाळेंतल्या प्रवेशाचे

प्रत्येक आवय बापूय
तयारेक लागता, करपाक
भुरग्याक दोतोर, अभियंतो, वकील
पूण भुरग्यांची तांक पळयनास्तना !
थापतात माथ्यार तांच्या
अन्यायाचीं वजीं
आनी
मागीर जातात भुरगीं निराश,
पिशीं, भ्रमनिरास, वतात पळून !
भंयान, लजेन.
मरतात, मारतात, आत्महत्या करतात
कांय व्यसनाधीन जातात
त्यावेळार दिवची पडटा जाप,
आवय–बापायक !!
अरे धांवतात खंय ?
कितें चल्लां?
पूण विचार करपाक उसंत आसा कोणाक ?
घोण उडटा म्हूण कावळो उडटा, !
कोगूळ गायता म्हूण गाढव गायता !
मोर नाचता म्हूण खेतें नाचता !
जाणात तुमी ?
एक ना जाल्यार दोनूच भुरगीं ती ?
वाडोवची तांका मायेन, देखीन, शिस्तीन,
तांचे कुवती प्रमाण, आवडी प्रमाण,
क्षेत्राची जाणवीकाय करुन,
शिकोवचीं, नदर दवरची
बरे, जबाबदारीचे नागरीक करुंक,
तांचो फुडार थारावप
पैशे लावन, लांच दिवन

नरक सर्तेंत धाडूं नाकात
पयली श्रेणी ! विशेश श्रेणी !! सगळ्यांत पयलो !!
हातूंत भुरगें व्हांवत वता,
पालकानी केला तेंच तीं करतात,
मारतात तांचे सानपण, पवित्र मन,

निसुवार्थीपण
आनी निमाणी ?
मरता समाजांतलें मनीसपण
विस्वास, माया, मोग !
जगतात मागीर यंत्रावरी
ऱ्हास जातलो सत्याचो,
कश्टांचो, विस्वासाचो,
सपनांचो, मनांचो
आनी किल्लतलें !
वायटूच वायट !!!

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
1168

आधार

चलता यत्न हांगा धरुन मारुन जगपाचो
तुट्टा खंय चिरो एक, ताच्या बुनयादिचो

कोसळटा कोसळटा सांभाळचें पडटा
ना मरण, ना जगप जावन रावचें पडटा

अशा वेळार आस जाता कोणा एकाची
दोळ्यांतली दुकां मायेन येवन पुसपाची
दिसता गोपांत माथें दवरचें दोळे धापून
कटकटीच्या जाळांतलो निमणो सुस्कार घेवन

अजापूच जायत अशें जर घडत जाल्यार
दुःख ना जातलें, संवसारांत कितेंय घडल्यार

तरुय मन आशेता दुकांच्या ह्या दर्यांत,
सोदीत आसता आधार संवसाराच्या जाळांत

जिणेची पावणी

रडटा नशीब आयज
म्हजे जिणेचेर
आनी
हांव बसलां नशीबाक घेवन मांडयेचेर

दोळ्यांक कळना रडचें कशें
काळजाक कळना फुटचें कशें
ओठांक कळना हांसचें कशें
कुडीचें ह्या आता जावचे कशें

सुख म्हजें सूर्यावरी
जिवीत म्हजें दिव्यावरी
अंतस्करण धग प्रदर्शना विणें
तत्व दुकां गिळप आनंदावरी

जाणां हांव जगचें आसा
जिणेक पावणेर काडचें आसा
अजापीत सगळे पळोवन हें
कुडीतलो जीव कसो जगत आसा ?

एक फावट, दोन फावट, तीन फावट
आशेची पावणी वाडत वता
मांडयेवेलें नशीब पडत कोणा हातां
पावतोसांची वाट पळयत रावता

सपन तें !

हांव येता,
हें पळय, उठलें, कांयच घेनासताना ?
तुज्या खातीर तुज्या मोगाखातीर
तूं, म्हाका आपणायतलो मरे ?
हय. आपणायतलो म्हजें मन सांगता !
ते दिसा हांव येंवपाचें,
पूण SSS
कितें सांगू ? आवय आंधळी ! बापूय अर्धांगी !
हांव एकलेंच
सेवा करपाक
तशें सोडून तांका येवूं ?
मन तयार जावंक ना
पातक तें !
आवय बापूय दैवत आमचें,
तातूंत तीं आधार नाशिल्लीं
पूण, करुं कितें ?
तुजो राग, तुजो मोग,
आवय–बापायचो मोग, तांचे रीण
खंयचें म्हजें पयलें कर्तव्य ?
मन वोट्टा दोनूय वटच्यान
हय !!
तांका सोडचेंच पडटलें
आज येता हांव, तांका सोडून
तुज्या खातीर, तुजें म्हणून !
आमी संवसार करचो, आनी तांकाय पळोवची !
तुका आवडटलें हें ? ना जाल्यार ?
कांय न ज. म्हजो मोग आसा तुजेर

आवय–बापायक सोडटां, त्यागता,
खरेंच ! कसली कटकट ?
तांका सांगू ?
हय, तांका सागुनूच येतां
हें कितें ? ना, ना, अशें जावचें ना !
आवय–बापूय संवसार सोडून गेलीं ? म्हजो मार्ग मेकळो केलो ?
शी, शी ऽऽ, पातकी हांव ! आई ऽऽऽ, बाबा ऽऽऽ
अरे ! हें कितें ? हांव तर सपनांत आशिल्लें ! खरेंच, सपन तें !!

दुसरो ?

परते परते विचारांचे किडे
वळवळत, घास मारीत
कोचून कोचून
खातात मेंदवाक !
गंजल्लें लोखंड दर्याच्या उदकान,
जाला मेंदू त्याच परी ?
झरुन झरुन ताचें कल्ल जालां
ताका लागून,
आंगातलें रगत आटून गेलां,

मेंदू खावन ते किडे रगतांत घुसल्यात,
खायत शिरो मांस, हाडां !
हाला हाल जातात जिवाचे
जितले किडे बुचबुचतात !
तितले मारतां, मारतां
पूण, आनीक जल्माक येतात

आंगाचो सापळो,
कांयच उरुंक ना ?
किड्यांचें खावप चालूच आसा,
दिसता या कुडीचे कुडके करचे,
वुडोवची कापून गंवटी
करची सुटका एकदाची !

ना, ना, मुक्ती ना,
आतां मेळत थंय ते घुसतात
आनी ?
पडटात भायर !
नाकातल्यान, तोंडांतल्यान
मेळटा त्या बुरांकांतल्यान
तांचेर पडटा नदर
दोमकावळ्यांची
येतात उडत, धांवत, चलत
किड्यांवांगडा तेहूय बोचायतात !
आपणाले चोचीन

हांव थकता, म्हणटा,
खायात खायात,
सपयात बेगीन !
किडे खातात मनशांक,
तांका खातात कावळे, गिदां, मुयो,
इतलें खावन
आतां सोदतात
दुसरो !!!

मरण इत्सा

सैमाची अखरेक म्हजेर कृपा जाली,
दिसलें,
देवानूच म्हजी आस भागयली
मडें म्हजें अचकीन सुखान भल्लें
आनी
उमेदीन तालार नाचूंक लागलें
सदांच
सुखाचें सपन म्हाका पडटालें
सपनात मन,
सुकण्यावरी उडटालें,
खरें घडलें जेन्ना रात सोंपली
दिव्याची वात,
व्हड जावन पालवली
धायी दिकांक जाळ पडिल्लो
जेन्ना सुख आसलें ?
खोशी आशिल्ले बरे मागपी
तेन्ना हांव हुल्पतालों
आनी
आयली ती सकाळ ?
रडत–लजत
मरण इत्सा भागयली
तशी
कूड हाडांची ऊठून बसली
वायट–बऱ्यानी
हार–तुऱ्यानी
सजयली !!
खांदो लायत सगळ्यानी

मसंड्डेंत व्हेली
मरण उमेदीन धुंवरार नाचतालें,
आनी
मडें शांत म्हजें
उज्यार हुल्पतालें !!!

म्हजें सानपण !

कोणें पळयला गा म्हजें सानपण,
ल्हानपण, भुरगेंपण !
हांगाच खंयतरी शेणला
नुरलां याच सैमांत, याच धर्तरेर

म्हज्या सानपणात एक काळ आशिल्लो
म्हज्या येण्यान
खोशेचो हुंवार धर्तरेर व्हांवतालो
धायी दिको पर्जळटाल्यो !
म्हज्या कुडीची अवतीकाय, अवयव
वर्णनां करीत झरिल्ले, थकिल्ले ओंठ, तोंड
लिकलिकपी दोळे आनी दुस्वास नखेत्रांक
लोक ?
जात्रेक जमूंना अितलो,
म्हजे दर्शनाक, रांगोच रांगो,
घराब्याचो दिवो पेटलो,
घराब्याचो दिवो पेटलो,
बोबो लोकांच्यो,
वाडो भर, गांवभर, जगभर !
गाटी–भेटी वाडल्यो
लागले नाचूंक घेवन,
कोणा खाक्यांत ! कोणा मांडयेर,
कोणा खड्ड्यार, कोणा हड्ड्यार
मनयले उत्सव दिव्यांच्या हारींत,
काळीज उकतें करुन दान केलें
पित्यान !

आशिर्वादांचो कळस जाल्लो,
उतरां सपिल्लीं
म्हज्या एकाच किळांचेन
न्हंयो, व्हाळ व्हांवचे बंद जाताले,
काळजां हालताली वयर सकयल जायत,
आनी
आवयच्या दुदाक पाझर फुट्टालो,
चंदनाचो पायणो, वेलुदाचे कपडे,
दोरी भांगराची ओडपाक !
सेवेक सुंदर चलयांची रांग,
कितले लाड म्हज्या सानपणाचे ?
जाता याद म्हका ताची,
पयल्या जल्मा दिसाची,
व्हांवतालें शीत तुपांतल्यान
शितापरस साखर चड,
शेणल्यो गोमट्यो कुकडांच्यो, बोकड्यांच्यो,
दर्यातलें नुस्ते काबार जाल्लें
भेट वस्तूंचो दोंगर जाल्लो
पळोवन सगळें हें देवाक दिसलें
घेवंक ना अवतार कित्याक हांवे ?
म्हज्या सानपणात
राखणेक सैन्यदेशाचें
नासली जमीन चलपाक म्हाका,
कपड्यांची गिरण दारांत,
तर गोरवांचे गोठे मागीलदारांत
खेळपाक तेकून घरा खेळामळ
शिकपाक वयर विश्वविध्यालय
पुस्तकांचे भांडार,

सेवेक शिक्षक हजार
फांटल्यान म्हज्या,
हांव खेळटालो, शिकतालो
आनी
जेन्ना हांवें म्हजें नांव बरयलें
तेन्ना म्हजे सानपणाचे दीस सोंपले
अजून मेरेन ना ते मेळ्ळे,
शेणलें तें सगळें !!
म्हजें सानपण कोणी दिता गा ?

सत्य

सूर्याची किर्णा ताळटार दवरुन
सुख हांव सोदतालो,
काळखे राती गुपाटांतल्यान
मुखार वतालों
अकस्मात,
नदरेक पडलें सत्य रस्त्यार पडिल्लें
चोंचून चोंचून कावळ्यांनी रक्तबांबाळ
केल्लें,
तेन्नाच,
विसरलों सुखाक, काळजांत 'चर्र' जालें
सत्याचे भोग पळोवन पांय
थंयच रोमले
चुरचुऱ्यान हांवे ताका
सवकासायेन वेंगेंत घेतलें,
तें पळोवन सगळें हें
दुःख थय थय नाचूंक लागलें
कर्तव्याचें पालन करत
जगोवपाचो यत्न जातालो,
त्याग करुन मायपासाचो
सत्याक न्याय दितालो
कितें घडलें तेंच कळूंक ना
भूयकांप सो जालो
गिदांवरीं दोन पायानीं
सत्याचो खून केलो
सांभाळपाक जालें ना,
सत्याक म्हज्या एकल्यान

आंगानआंग झडलें
करत ताच्या राखणेन !
सांग रे संवसारा असो
सत्याचो अंत कोणे केलो ?
त्याग कर्तव्याचो निमाणो
उपेग अंत कसो जालो ?
सत्याचो अंत असोच जाता ?
आपणालें रगतूच परतता !!
सत्य सूर्याचीं किर्णा हातांत धरलीं
सत्य दिसलें !
पूण कात लासून गेली

एक बाळक !

कान फुटसर किळांच्यो मारता
जिवाचो उजो जातना,
दिसता
तेन्नाच मरण येवचें !
निमणो स्वास घेवन !!

वाकडी तिकडी जावपी कूड ती
विचित्र अवस्था,
वळवळटा, हात पांय आपटीना, धोपटीता
हजारानी धरतात !
हातांत हात, पायांर पाय,
धुमशणा कांडटात !
पूण
आटापा येना, कोणकच आयकना,
किळांच्यो चालूच !!
आयकून कान फुट्टात
पुराय आंग थरारता
सगळो संवसार घुंवता सो दिसता !
आनी
एकलो दोनूय हातानी यत्न करता
सैमान निर्मिलेली वस्त काडपाक
हाताक कशी लागना !
हात पावनांत !!
शक्त लावची पडटा,
हें कितें ?

चड त्रास, चड हाल अती दाह
रगताचो शिंवर
रंगतात हात,
तांबड्याच, काळ्याच रगतान,
रगतच रगत !!
भिवन मारतात उलो देवाक
निमणो उपाय म्हूण !
आनी
अकस्मात घडट्टा
जें केन्नाच आयकूंक ना,
पळोवंक ना, घडूंकना,
सगळे पळयतात दोळे भरुन,
निमणे शांत जाता तें, वादळ !!!
तो सांवार, तो अवसर
त्यो बोबो, त्यो किंळाच्यो
कित्याक ?
तर जल्माक येता एक बाळक,
ल्हवूच किळांच मारुन,
दिता तो आनंद, समाधान, एक तृप्तताय !
दिसता
जिणेचें सार्थक जालें
कष्टांचे, भोगांचे फळ मेळ्ळें
याच सुखाखातीर तर णव म्हयने सोंसलें,
आनी
धन्य जाली ती कूड
पळोवन,
आपणाल्या बाळकाक !!

म्हाजो भाव म्हजो दुस्मान

एका घराब्याक, दुस्मानानी कणयो घालून
झुजयले !
आनी केले दोन कुडके
दोगांकय देवान सारकेंच दिल्लें,
पूण म्हगेलें ताका चोरीन दिसलें,
थोडो काळ ओगी रावलो
पूण, सुधारपाची चिन्ना ना
एक फावटी धल्लो, एक फुलयलें आनी सोडलो
दुसरे खेपे धल्लो,
दोन फुलयली ! सोडलो
पूण तिसरे खेपे, म्हजे धाकटे भावा वांगडा झगडलो,
बरींच दोन–चार कानसुलार फुलयलीं
आनी धाकट्या भावाक, दुसरें घर बांदून दिलें !
हागेलें भाट–बेस काडून घेतलें,
सामको रान्नीकडेन पावलों !
बरोच तापयलो, धमकी दिली,
बापडो रडपाक लागलो,
म्हणपाक लागलो, अशें परत करचोना
चुरचुरे दिसले
ांवचे लोक म्हणपाक लागले, कित्याक रे ताची काश्टी काडून घेता ?
चितलें, भावच म्हजो आनी सोडलो
रोखडोच एक पावल वयर करुन गांवांक सांगपाक लागलो
आपूण जिखलों, आपूण जिखलों ऽऽ
थोडो तेंप गेलो, परते तेंच
पिडा पीड, गाळ्यो, फातरमारप, बेश्टीं झगडीं उप्रासप
खूब सोसलें,
पूण हाजें कुतो काडपाचें उणें जायना !

गांवचे लोकांक नाका तें सांगून
म्हजें नाव पिड्ड्यार करपाक लागलो
हांव सभावान शांत, झगडी आवडनात, परवडनात
म्हजे घरांत, सगळ्या देवां फोटो !
हांव सगळ्यांक मानता,
म्हणटकच म्हाका शांती गरजेची
भावलें ह्या बरें, एकूच फोटो लावन भोंवता !
पूण ताका फोटवाचें पडूंक ना, ना घरच्यांचे
फक्त दुस्मानांच्या सांगण्यान म्हाका त्रास करप,
हेंच काम
तिडकीन हांवे असो फोग लायलो, असो फोग लायलो,
आयकून सगळो गांव आनी घरची भियेलीं !
आखांत आयलो तांचेर !!
पूण ह्या पिशान, म्हाका शापतां सांगपाक,
म्हाका बुद्द शिकोवपाक, रिण काडून फोग माल्लो,
पडलो त्रासांम !
कित्याक ?
आमी फोग परबो मनोवपाक मारिल्लो,
हाणे बेठोच लायलो आनी सांगलें
जशाक तशें !
गांवचो लोक भियेलो,
पूण घरचीं म्हजीं हांसपाक लागलीं,
म्हणपाक लागलीं,
भावालीं नेरवां परती चाळवळीं दिसतात
आनी खरेंच आसलें तें !
कारण कितें जालें ?
हांवे बरेपणान, म्हजे दुरगाक फुडल्यान दार दवरलें,
दिसलें,

तागेल्या, आमच्या घरच्यानी एकामेकांगेर, येवचें,
घराबो, वाडोवचो, शांतीकायेन रावचें
पूण ह्या दुकरान, म्हजेच घरा फाटल्यान, भितोडे, वणटीक
बुराक केलो !
म्हाका खबर ना हो अशें करत सो ?
म्हजी तिडक मस्तकाक माल्ली, सामको भार आयलो
गांवच्या लोकांक दिसलें, आतां भावालें मडें पडलेंच !!
भितोडे वचून पळयत जाल्यार, वांगडा आनीक नवे चोर !
हांवे वेळ करुंक ना,
असो शेपलायलो, असो शेपलायलो, म्हकाय माशें लागलें
सामकी दींड काडली गांवभर ! लजेक घालो ! नाकूच कापलें
सांगलें, परती तकली वयर काडत जाल्यार, चाचायतलों
हे घडणेक लागून भावाच्या घरच्यानी, ताका घुडांत घाला !
गांवच्यो वाटो बंद केल्यात, घरचीं त्रासांत पडल्यांत,
आता कोणूच नदर घालना, म्हजेकडेन बरेंपण करुंक सोदता ?
सद्या मात्शें शांत आसा, पूण हांव मात जागरुक आसा !!

ए ऽऽऽ बाप्पा ऽऽ

ए ऽऽऽ बाप्पा, बाप्पा रे बप्पा ऽऽऽ आरे रेरे बाप्पा ऽऽ
साडे चारशें वर्सां पयलिचें, सपन तुका पडलें,
गोंयचे राजकरण पळोवन, रडूंक तुका आयलें !
ते आयले राज्य केलें, बाटोवन सगळ्यांक गेले,
उरिल्लें नाशिल्लें सगळें, पुतानी काबार केलें
ए बाप्पा – – – –
दुर्गातलें घर तुजें, हुमेन तुवें बांदिल्लें,
इंजनेर पुतान मोडून (पुराय), मळ ताचे केलें,
पन्नास मजले बांदून थंय, धंदो ताणे केलो,
आनी बाप्पाच्या हातांत, एकूच 'रुम' आयलो !
दुसरो पूत दोतोर म्हुण, बाप्पा उमेदीन नाचलो,
एक दीस पळयत जाल्यार, येरोपा वचून न्हिदलो
धूव सुंदर दिसता म्हुण, बाप्पान पेढे वाटले,
पळयत जाल्यार कुवेताचें, ॲयर हॉस्टेस जालें,
बाप्पा पडलो एकलो आनी आई जाली जाणटी,
सगळें आसून आयज आयली, बाप्पा हातांत कट्टी
ए बाप्पा – – – –
शेतां, भाटां, रानां, बाप्पा सोदूंक लागलो,
दोंगर, चडट्टां, चडट्टां, सगळोच खड्डो ताका दिसलो
खारें उदक न्हावपाक बाप्पा, दर्या देगेर गेलो
बीच 'रिसोर्टां' पळोवन, बाप्पा पुराय निर्शेलो
गोंयची निजा संस्कृति, बाप्पा पळोवंक आशेलो,
सोदतां, सोदतां पुराय, हिप्प्या मर्दीं शेणलो
हेंच तें गोंय काय ? परशुरामान निर्मिल्लें,
हेंच तें गोंय काय ? आमी स्वतंत्र केल्लें !
तांबडी मातयेचेर पातकां पळोवन बाप्पा सगळो कांचवेलो,
वेळ आयला सोंपपाचो, बाप्पाक दिशटावो जालो
ए बाप्पा – – – –

आबे सेदेचें, ए बी सी डी जालें,
पवित्र थळां मोडून ताचें, टुरिश्ट हॉस्टेल केलें,
इत्रुजाचो कार्नावाल करुन, भोंवडेकारांक लाळायले,
गोंयचें पुराय सैम सोडून, बायणा वेळेर पावले,
व्हड--व्हड कारखाने निर्मून, मंत्र्यानी आमच्या जोडलें,
गोंयच्याच पुतांक सर्वीस म्हूण, वॉचमेन सगळ्यांक केले
गोंयचे मीन काडून, बाप्पान धुल्ल खालो
गोंयकार थंयच उल्लो आनी भायलो भाटकार जालो
ओर्राद, तोर्राद, फेर्राद हेंच आमी शिकले,
धोतर, तोपी, कोट सोडून, फोरेनर आमी जाले
ए बप्पा – – – –
फिरंग्यांक भिवपी बाप्पा, भिता आपल्या भावांक,
विस्वास दाखोवन लेगीत, फटयतात आपल्या देवांक
दोतोर, वकील , बुदवंत, सगळेच पैशां फांटल्यान
गोंयच्या उदरगती नावान, सगळेच चोरां फांटल्यान
तुंहूय खा, म्हाकाय दी, चड उलयता तर ताकाय दी,
कितेंय करुन ओगी राव, चलता तें चलू दी,
देवभावार्थी गोंयकार आज, जाले कशें देंवचार
वायट कर्तुपांचो कसो तांचेर आयलो हो सांवार
जायना सोंसूक सगळें म्हूण, बाप्पान दोळे धांपले,
त्याच खिणांक नातरांनी आपलें सादून घेतलें !!!
बाप्पा रे बाप्पा – – – –

कावळो खंयचो

तुजो रंग काळो, तुज्यांत ना सोबीताय,
कसली तुजी रचना ?
निदान आवाज तरी गोड ?
कान फुटसर ती बोब,
कांव, कांव करुन मारप मरे ?
तुजी नदर सदांच भोंवशाचेर
बरें तें तुका जाय,
भुरग्यांच्या हातांतली चपाती व्हरुन,
तांची कुलकुलाट घालप मरे ?
असली कसली तुजी नदर,
कोणाचें बरें तुज्यान पळोवंक जायना,
आतांच भायर आयिल्लीं तांतयांतल्यान
कोंबडे पिलां व्हरप मरे ?
झाडावयली पिकीं फळां खावप,
ताजेर आपलो संवसार करप
पिवपाक नळा उदक जाय,
मागीर बांयचे धडेर बसून
उदकांत विश्टा उडोवप मरे ?
मेल्ल्या मनशांक पींड दितात,
पूण, तूं मान घेवन वता
वरांची–वरां वाट पळोवन
पिंडाक चोंच मारप ना मरे ?
कावळो खंयचो ऽऽऽ

मंत्रीरे मंत्री

आमचो मंत्री व्हडलो भाटकार
प्रजेक लेखता आपले मुंडकार
मनीस घरांत घोळटात ताच्या
मनीस भाटांत राबतात ताच्या
गरीब गिरेस सज्ञानी–अज्ञानी
हाताखाला दास ते हजारानी
आमचो मंत्री राजाचो पूत
बायल ताची राजाची धूव
दादले मानाय ताच्या राज्यांत
बायलो वावराडी तिच्या घरांत
जाणटे–नेणट्यांक तो पळयता
धाकल्या भुरग्यांक ती पळयता
कट्टी खायरे हाच्या दारांत
काडून उडयिल्ली पोरां तिच्या घरांत
सरकारी येवजण्यो तो खाता
दुदावेली साय ती खाता
आदाराचो 'आव' तो करता
मायेची उतरां ती गळयता !
आपले आवयक रस्त्यार सोडल्या
सावत्र आवयक घरांत पुजल्या
कामाचो तोरो कसो सत्याचो
पूण वास करता असत्याचो
राज्यांत शिक्षीत गाढव ताच्या
राज्यांत पंडीत दुकर ताच्या
मंत्र्याचे दोळ्यार दुडवांची साय
प्रजेचे वाटयेंत ना पेजेची साय
कुशिल्लें काळीज धवें कातयेंत

कात लिपयल्या धवे सफारेंत
मंत्र्याची गाडी धवी धवी
बायलेची साडी तांबडी तांबडी
प्रजा बाबडी पळयत उरता
मतांची तांका याद जाता
प्रजेक संवय अन्यायाची
मंत्र्याक संवय शोशणाची
विद्रोह आतां जावंक जाय
शेळें रगत आतां पेटूंक जाय
नाजाल्यार असल्या प्रजेन शेण खावचें
काकणां भरुन रस्त्यार नाचचें
कलवतांवरी प्रजेन जगचें !
मंत्र्यान मात तांका नाचोवचें

आमचें राज्य

आमचें राज्य आमचें राज्य
बोंबले देठांतल्यान नारो दिलो
नारो दिवपी थंयच उल्लो
राज्य चोरुन भलतोच गेलो

अन्याय जाता अन्याय जाता
दुसरो सगळयांक सांगत रावलो
जिवीत भर बोब मारली
आनी एक दीस बेठोच मेलो

नोकऱ्यो सगळ्यो आमकां जाय
तिसरो हक्कान झगडलो
हाचोच चलो परदेशांत गेलो
हो केन्नाचो निवृत्त जालो

कोकणी उलय कोकणी बरय
कोकणींतल्यान राज्य चलय
ताचींच भुरगीं देणगीं दिवन
इंग्लीश शाळेंत वतात अचळय

वयल्या अधिकाऱ्याचे जागे सगळे
दिवचे आमचे भूंय पुतांक
आरे ! अधिकारीच जर परके आसात
पावतात फकत आपले भावांक

राज्य कर्ते आमचे दुडवां फांटल्यान
पडला खंय तांका पुतांचें ?
खाल्लें भायर सरत म्हूणं
करतात कल्याण भायल्यांचें

आतां राज्य विकपाक काडलां !
कोण विकतें घेता काय ?
परक्यां फांटल्यान ल्हेंवत भोंवतात
घरच्यांची जाता नसाय !!

दोळे धापून कामां चल्ल्यांत
कोणूच आमकां वालीना
बोवाळ केल्यार पैशांचो गुड्डो
धमकी दिल्यार गुंडांचो हल्लो

येतलो एक दीस असो
सोदचें आमकां पडटलें
तेन्ना जातलो वेळ खूब
आपणा घरांतूच आमी सोयरे जातले !!

आत्मो आनी हांव

आत्मो सामकारा रावन म्हज्या
विचारता,
अरे हाडां मासाच्या
कित्याक तुजे हे तळमळे ! धडपडे !
तुज्या कट्ट्यांत हेंच आसा
मात्सो ओगी पड !
स्वाभिमान दुखून म्हज्यांतलो
हांव जागो जालो,
तिडकलों ?
दिसलें, जीव म्हजो, कूड म्हजी
बरें–वायट सगळें म्हजें
भोग म्हजे, कश्ट म्हजे, खटपटी म्हज्यो
सथर वथर तूं कित्याक जाता ?
तूंच पयली दळदिरो
अरे !
न्याय–अन्याययची जाण नाशिल्लो
अभरगत खंयचो
वस वस फक्त सत्तेचो
ल्हेंवता तांची घाण, नर्क, नपुसंक खंयचो
भिकारी तूं
कश्टाचें मोल म्हज्या
तूं कितें दितलो ?
हांव तातूतलो न्ही
दिमी मोडून हात जोडून
किळांच्यो मारुन
पुडवें न्हेसून, नाक घस्टून
साष्टांग लोटांगण घालून
बनेल, बाळकावरी

दारांत तुज्या लाचार
म्हजी तत्वां सोडून !

हांव गाराणे घालपी न्हय
पड हाडपी न्हय,
योग्यांवरी वळींत रावन
दर्शनाक तुज्या रावपी न्हय
रथाचेर नाल्ल मारुन
हातांत
कट्टी घेवपी न्हय
हांव तुजो भक्त खरो
पूण म्हजें घर तुजें देवूळ न्हय !

हांव आसा सर तूं आसा,
ना तर कांयच ना,
मोल तुजें कस्पटा प्रमाण
थुकपी लेगीत कोण ना
दिसत तुका
जल्मल्लो प्रत्येक जीव
तुज्याच फांटल्यान आसा
पण बगर तुज्या जगपी
हांगा जायते पिशे आसात

अशा भ्रमांत राव नाका,
हो गर्व बरो न्हय
हांव जाणा, सैमांतलें सोबीतपण फुलोवपी
मनीस हो खरो न्हय
पूण मनीसपणाचो फुडार हो
मनशाबगर उरचो ना,
तुजे नेम, तुजें जैत

मनशां अितलें व्हड न्हय

अितलें उलोवन हांव खरशेलो
रागान शांत जालो
आंग पुराय थरथरलें
अचकीत सुकिल्लया शिरानी
आटिल्लें रगत आयज सळसळ्ळें
दाट कंवचेच्या चश्म्यांतल्यान
हांवे फुडाकार पळेलो
काळोखच काळोख सामकार दिसलो
आनी
आत्मो !!
म्हाका सोडून वतालो !!!
वतना ताणे प्रश्न केलो,
मनीस जल्माक येवन
मनिसपण विसरिल्ल्या
तुका विवेक, स्वाभिमान आसा ?
तू कितलो भ्रश्ट ? दुश्ट ? सुवार्थी ? निर्दयी ?
गर्विष्ट जालो ?
तुजी संस्कृति, दायज खंय गेलें ?
तूं आशिल्लों कोण ? जालो कोण ?
दोळे आसात ?
उघड ते, फाटी पळय !
आठय तुजें कर्तव्य
आनी फाटी सर
पूण हें करपाक
हांव थंय नाशिल्लो
उरिल्लो तो फकत पंजर !!

खोंप

दर्यादेगेर विलुदावरी रेवेंत माडां–माटवांत सोबीत
इल्लीशी सर्ग सुखान भरिल्ली
म्हजी चुट्टांची खोंप आसा
खोंपितलें सुख पळोवन, दर्या उचांबळ जाता
पावसा दिसानी रागान विरभद्रावरी नाचता
माणकुली खोंप म्हजी भियेता, थरथरता
आंगावेल्यान उदका पावळ्यो व्हांवंक लागतात
शिंया धुक्यांत खोंप म्हजी लिपून वता
उमेदीन ती भुरकुट्टा
फाल्यारुच तिच्या आंगार बारीक घाम फुट्टा
तेन्ना खोंपितलें सुख धुंवरावरी
खोंपी भोंवतणी घिट्टयो घालता
तें पळोवन दर्याची ल्हारां उमेदीन देगेर येतात
आनी निर्शेवन परततात
खोंपिचें तें वर्णन कितें ?
करपल्लिशी, हरवीशी, हळडुवीशी
चुट्टांनी ती धांपल्या
कोंडे आनी मल्लांनी
वणट्यो तिज्यो सजयल्या
भंय ना तिका चोरांचो
भंय ना तिका कोणाचो
दर एकल्याक ती आलाशिरो दिता
रावन गेल्लो धादोशी जाता
भांगरा–चांदिची जमीन हांगा
न्हिदल्यार मुखार सर्ग दिसता
वारोय दार हालोवन ल्हवूच भितर सरता
पुनवेचें चान्नें चोंयवाटेन शिंपडता

पुराय रात रुप्यावरी दिसता
खोंपितलें सुख पळोवन म्हज्या तें
चुट्टांच्या बुराकांतल्यान भितर सरता
नदर लगपापरी खोंप ही !
दारांत सुणे राग गायता,
ताळो सुरांटून कोले जाप दितात
याच तालार रातीचो हुंदरांचो खेळ
दोळे भरुल माजर तो पळेत रावता
दिसाचें मुसांचे शास्त्रीय संगीत
रातचें किमसांचे पाश्चात्य संगीत
कथकलीच्या म्हज्या ताला वांगडा
माथ्यार भैरवी घुघूम गायता
एक खोंप एक हांव हांगा
सुखाचो हुंवारुच हुंवार
कोण सुखी कोण दुःखी
ना जाण हाची तिका
रंग–भेद विसरुन दिता येवकार सगळ्यांक
पळोवन सगळें हें, येवंक लागले
सर्ग–म्हाल सोडून देवूय भायर सरले

भुरगेंपण

दी गा म्हजें भुरगेंपण, सानपण, ल्हानपण
दुदावरी धवें, व्हांवत्या उदकावरी, नितळ हारशावरी
ना ती खंत, चितना कसली
ना तो हावेस, कसल्योच अतृप्त वासना
ना ती भोगावळ, ना कसलो वस वस
फक्त रागान आनी भोगान भरिल्लें भुरगेंपण,
भुरग्यांले भुरगेंपण !!
हांगाच विष्ठा मूत करुन
खेळचें तातूंत
खावची माती, फातर, खवळे
भूक लागल्यार मारची किंळाच
ना जाल्यार
लाळ गळयत
कुलकुलाट करप !
कोणी दिता गा म्हजें भुरगेंपण ?

हात पांय मारप, उमथें पडप, पोट ओडप
धांवप, हालता, चकचकता में धरपाक पळोवप
दिमखुऱ्यो मारप, गुडू–गुडू करुन वचप
हात, धोंपरा म्हेंळी करप
उदकांत मातयेंत, धुल्लांत लोळप
सर्वकाळ सर्गीचें सुख भोगप
कोणी दिता गा म्हजें भुरगेंपण ?

हे कुशिंतल्यान ते कुशींत
हाजे गोपांतल्यान ताचे गोपांत
केन्ना आवयचे, केन्ना बापायचे
केन्ना सगळ्यांचे !

जाय तेन्ना आवयचा पदरा पोंदा
अमृत पिवप
दिसता तें तोंडा़त घालप
बोट, आंगठो, हात लेगीन
आंगलें, झबलें, उशें, माणो
न्हीद आयली निदलें,
जाग आयली जागलें,
दीस, रात, सकाळ, दनपार, सांज, मध्यान्न
खंयच्याय पारार हांसप, खेळप, न्हिदप
कोणी दिता गा म्हजें भुरगेंपण ?

पिवपाक लागल्यार कितेंय पिवप,
गायचें दूद, म्हशीचें दूद, बोकडेचें दूद, डब्याचें दूद
पेजे निवळ, भाजेचें उदक, नाचण्याचें सत्व,
खावपाक लागल्यार खावप,
पेजेची कुयां, तांदळा पिठा गुठल्यो,
पिकीं केळीं चिडिल्लीं, फुगिल्ल्यो बिस्कीटी, चपात्यो,
मागनासतना सगळें मेळटा
कोणी दिता गा म्हजें भुरगेंपण ?

जाय जाल्यार वस्त्रां घाल, ना जाल्यार उगतें पड
कपडे घाल्यार थुळोवण्यो ना घाल्यार थुळोवण्यो
हांगा हात लाय, थंय हात लाय
कोण उमो घेता, कोण मुड्डिता
सगळ्या सुखानी भरिल्लें म्हजें भुरगेंपण
कोणी दिता गा ?

ना ती जाण जातिची, ना ती धर्माची–कातिची
भुरग्यांभितर भुरगें जावन रावप,
उदकावरी एक जावन,
मोगान एका मेका खोडी काडून
परतें एकठांय जावप त्याच मोगान
ना राग कोणाचो, ना दुस्वास कोणाचो
आपणाल्या आनंदातल्यांन
दुसऱ्यांक सुख दिवप, रिझोवप
होच धर्म हीच जात
देवान निर्मिल्ल्या मनिस जातिची
परत कशें मेळत काय
तें म्हजें भुरगें पण
कोणी दिता गा ?

दोन हात

दोन हात हे, दोन पायांच्या जनवरांचे
कितें करत तें नेम ना
धन्य तांच्या करणेचे
सवसांरातले बरें वायट हेच हात करतात
देवाची पुजाय करतात आनी देवाकूय नागयतात

या हातांक कोण वळखना ?
पूण गूट तांचो कळपाना
हांसत हांसत हातांत येतात
हांसत हांसत पोटांत वतात
जल्माक घालपी हात हेच
मसंडीत पावोवपी हात हेच
हड्डें बडोवपाक हात हेच
कपलां फोडपाक हात हेच

हे हात, घेवंक जाणात
हे हात, दिवंक जाणात
चोरपाक हात जाय, धरपाक हात जाय
मायेचो तकलेर हात जाय
गळ्याचेर सुरी दवरुंक हात जाय
धरतरेंतले उदक काडपाक
उदकांतलें मोती काडपाक
सर्ग घडोवंक, नर्क उडोवंक
हात ही हात जाय
विस्वासाचो हात होच
अविस्वासाचो हात होच
शाबासकी दिवपी हात होच

जयकार करपी हात होच
'कम कम' म्हणपाक हात जाय
'बाय, बाय' म्हणपाक हात जाय

हेच हात अप्रुपां घडयतात
तेच हात निसंतान करतात
हेच हात फोण काडटात
मेल्ल्याक सोडून जित्याक पुरतात
हेच हात फांसार चडयतात
हेच हात अब्रु लूटतात
कसलें कर्म हातान जायना ?
हातूच कापून हातांत दितात

जिकल्यार उबारपाक हात जाय
जमनीर आपटुपाक हात जाय
राखण करपाक हात जाय
निती भ्रष्ट करपाक हात जाय
हे हात जात पळयनात
हे हात धर्म पळयनात
सुवार्थाचे हात हे, कोणाचीच फाट सोडिनात
हे हात उबे एका मेकांक जोडून
दाखोवंक विश्वाक,
अज्ञानी, अजाण, निसुवार्थी, जावन.

जाणात तुमी ?

एक सान भुरगें हांव, एक ल्हान भुरगें हांव
रुपेस्त, सोबीत, सैमान नटिल्लें
एक सान भुरगें हांव !
युगांची युगां सपतात, पूण
म्हजी सुंदरताय सरना
म्हजेर नदर पडिल्लो प्रत्येक मनीस
म्हजे मोगांत पडटा, शेणोवन आपणालें काळीज
हांगाच घराबो करुन, वांगडा
संवसाराचें चिंतता
म्हज्या परी आनीक सुंदर
म्हजी एक भयण आसा, पूण !
आज ती विधवा जाल्या !!
आनी, आता म्हजें तशेंच जावपाचें आसा
संवसारांतल्या जिणेत हांवे खूब पळयलें,
एका काळार
म्हजे सारखे सुखी, कोणूच नाशिल्ले
त्या वेळार
निसुवार्थी मनीस, मायेस्त भुरगीं,
हांवच तांची आवय जावन पोसतालें
काळ गेलो
नवीं मनशां पळेलीं, राजवटी पळेल्यो,
राजा पळेले, बरी–वायट दोन पायांची जनवरां पळेलीं
तांची झगडीं, पापां, सुवार्थ, अतृप्त वासना,
फटींगपणां, विश्वासघात, नाड बुध्दी,
सगळें पळेलें
आनी
साडेचारशें वर्सां कितें पळेलें ?

तर, पापांचो दोंगर !!
ल्हान भुरगें हांव,
पूण सदांच पांचवोच शालू न्हेसून,
ताचो पदर तर निळोच–निळो,
मदीच हळडुवी–धवी देग, भांगराची
एके काळार हांगा सुकणी, सावजां जिवाळ
भावार्थी मनशां,
एकवटान रावलीं
कळूंक ना, रंग, जात, धर्म, वर्ग त्या काळार
हांव भुरगें खरें, पूण ती म्हजी भुरगीं आसलीं
आनी एक दीस पडलें धवें पावल हांगा
वाट लागली म्हज्या जिविताची,
दैना जाली म्हज्या भुरग्यांची,
धाय–धाय रडली हांगाची माती
साडे चारशें वर्सां तापिल्ल्या तेलांत,
भाजून म्हजो गोबोर केलो
जाले जागे एक दीस पूत म्हजे,
करुन बलिदानां, करुन त्याग सर्वस्वाचो !
आनी मेकळें केलें म्हाका,
धव्यांच्या जंजाळांतल्यान
मुक्त जाले, देव–देवी,
मुक्त जालीं पवित्र थळां
सगळें बंदिस्त मुक्त जाले, आनी
जाले आमी सगळे एक
आनंदाची गितां गावंक लागले
पूण काळा वांगडा म्हजी भुरगीं, नातरां, पणटुरां
बेमान जालीं !!
वांगडा सयरीं–दायरीं आयलीं
तांचो पालव घेवन परत केलो अत्याचार म्हजेर

गोड उतरांचे घाये घाले
म्हाका भितरल्यान पोखरुंक लागले !
पाचवो शालू म्हजो पिंजून तिस्त्यो केल्यो
विवस्त्र करुन म्हजी इभ्रत काडली
आनी शालवाची नीळी देग कापुनूच काडली !!
जाली याद धव्या राजवटीची,
तांच्या पातकांची
सुकणी, सावजां भीवन गेलीं,
दर्या–न्हयो आटून गेल्यो,
पिकाळ जमीन पडींग जाली
पोरनी घरां वचून बिल्डींगी आयल्यो
नव निर्माणाचें, सुवार्थाचें काम सुरु जालें
बांदांचे रस्ते जाले,
दोंगरांची मळां जालीं
दर्या आटोवन हॉटेलां घालीं
व्हडले व्हडले कारखाने, फॅक्टरी आयल्यो,
विखाळ जालें म्हजें उदक
नवीं–नवीं दुयेसां निर्माण जालीं
सुवार्थी फटींगाचे सादूंक लागलें
सत्तर–ऐशीं वर्सां जावचे बदला
पंचवीसाचेर मरुंक लागले,
खूब पातक वाडलें
आतां प्रस्न, येवपी पिळगेचो !
जाणी निसुवार्थान सेवा केली
रगत सांडयलें, बलिदानां दिलीं,
तांचो त्याग आज मातयेभरवण जालो !
तांचो सत्याचो मार्ग,
फुडाराची स्वतंत्र वाल मारुन उडोवन
अधर्मान, असत्यान,

पावणेर काडून म्हजो लिलाव केलो !!
पूण
आतां हांव ओगी रावचें ना,
उग्र रुप धारण करतलें,
भुंयकाप, हुंवार, वादळ हाडून काबार करतलें,
तांची माया, तांचो संवसार, तांचो सत्तेचो वसवस
निसंतान करुन तांचे सगळ्यांचें
परत हरित–क्रांती, सुख–शांती, एकवट घडोवंक
परत तेच मनीस सादे, निसुवार्थी, मोगाळ
करचे पडटले यत्न म्हाका
दिवपाक सगळ्यांक सर्गीचें सुख
पूण, पूण
हें तर म्हजें सपनच उरचें ना म्हूं !!

कोण तूं ?

अचकीत तूं जल्माक येता
घेवन खंयचेय लिंग,
मृगजळावरी भुलोवप तुजें
कोणाकय पिशें लायता !
सुकन्या तूं, सुपुत्र तूं
रुप तुजें चंद्राकूय लजयता,
भांगरावरी केस तुजे, नकेत्रावरी दोळे
सावरी कापसावरी आंग तुजें

रुपवर्णनां करता, करता
यौवनान तूं व्हांवक लागता,
पिशें जातात गांजिल ! भोंवरे ! पिसोळीं !
चोखूंक तुजें म्होंव, वेंगेत तुका घेवंक
मत्सगंधेवरी सुगंध तुजो,
जातात उचांबळ दर्या, मळब, पाषाणां,
दिसता,
तुजो बेठो स्पर्श, नदर तुजी
हय न्हयशी आसत जाल्यार
शंभर जल्म घेतिल्ल्यावरीं दिसतलें
आनी, जल्माचें सार्थक जातलें
दिसता तुका भितोडे मेळचें,
दिसता बागेंत मेळचें,
खंयतरी एकांतात, काळखांत,
तुज्या रसरशीत ओठांचेर ओंठ दवरुन,
कडकडीत उमो घेवचो,
लूटची तुजी जुवान पणाची खाण,
आनी जावप अमर ह्या धर्तरेचेर

सांगचें ताळो सरांटून संवसाराक
आव्हान करचें देवांक
की हांवूच तो राजा, हांवूच तो शिल्पकार
तुवें घडयिल्ल्या अळंकारीत मुर्तिचो
उपभोग घेवपी, हांवूच तो !!
पूण ?
अशाच चिंतपात, कर्तुपांत, वर्सां वतात,
सपतात युगांची युगां,
आनी तूं अजरामर जावन जुवानपणात भरुन उरता !
पावला कणकणी याद तुजी,
दिसता प्रत्येक रात सुहाग रात शी,
जाता याद तांची,
त्यो चान्न्याच्यो राती, जागयिल्ल्यो,
तांबडे दोळे करुन पेटयिल्ल्यो
ना पावस, ना गीम, ना शीं
धूंद जावन तू आनी हांव भोगत रावले
अशा वेळार, जोडलें कितलें, मोडलें कितलें
कोट्याधिश, अब्जाधिश जालों,
हिशोब नाशिल्लो कोण कितें खाता,
कोण कितें व्हरता ? अखंड व्हांवतालें ऐश्वर्य
पूण ? काळ रावंक ना !
तुका मूळ रुपांत दवरुन म्हाका पिकयलो ?
आरशांत वर्तमान म्हाका हांसतालें !
भविश्याची शास्वती ना
आनी हांव केंसार रंग चडयतालों,
रुपडा मिरयांमदीं पावडर भरतालों,
तिकतिकसाण हाडपाक चामडी ओडटालों,

'आर' शी हातांपायांक सूरु जाल्ली
थंय लिंगाचे तें कितें ?
तरुय हांव ताणटा जिवित व्हडें, प्रयत्न करुन
पूण दांत जिबेर नाचताले
पोले दातांक घसटताले,
कुडीवेल्या मिरयांच्या जाळांत हांव,
तुका सोदतालों
पूण आसली तातूंत,
म्हज्यांतली सुवार्थाची पेट्टी जोत !
अचकीत ती ना ऽऽ च जाली
आनी दुसरें रुप, दुसरी कूड, दुसरो गंध
घेवन तूं कोणाच्यातरी कुडींत
लग्नाची पयली रात मनयता,
कोणाची तरी सपनां रंगयता,
हाय !!
तेन्ना हांव पळयत उरतां काळावांगडा
थेंब्याची वाट,
गंगाजळ, गंगाजळ म्हणत !!

खरें मोल

दोन वाटांचेर मन म्हजें
धड आलतडीय ना धड पलतडीय ना
वयल्यावयर ल्हारांर हुबता
मदींच सूर्य दिसता, मदींच चंद्र दिसता
दर्याचो थाव घेता, मळबाची उंचाय सोदता
मळब नीळें काय दर्या निळो
हाचो सोद घेत नखेत्रां मदीं पावता
वयल्यान धर्तरीचें दर्शन घडटा
धर्तरी अिल्लीशी, कुसकुटावरी
तातूंत म्हजें घर सोदता
सोदता त्या बुदवंतांक
विरांक, शुरांक
'मी' पण मिरोवपी दोन पायांच्या जनावरांक
तांचे वयल्यान म्हत्वच सपता
खंय तो गर्जूपी दर्या ?
'सुरांट' मारपी वाळवंटातलें मोड !
धर्तरीच कस्पटासमान !
जाल्यार
तांचें मोल, कुस्कुटापरस पाश्ट
हांव अजापता आनी चिंतता
तशें जाल्यार आपणालें मोल कितें ?
आपणाल्या विचारांचे ?
कर्तुपाचें आनी तत्वांचें ?

म्हातारी

ती सुक्यांतल्यान ओल्यांत गेली
आनी
सापडली दलदलींत
आंगार एक फाळ
तोंड जमनीक
मिरयांचे आंगभर जाळ !
केंस केंस भांगराचो
हातांत तिजेवरी बरगेल्ली बडी
आदाराक !!
दिसता बडी बागवता काय कमर ?
ती चलता
गर्दीच गर्दी
कोणाक कोण वळखना
वळख आसल्यार दाखयनात

मनीस धांवतात, पांय धांवतात,
तांच्या मुखार मनां
आनी
मुखार सपनां !!
कित्याकच खंय मेळ ना,
कसलीच कोणाची आस ना,
तरुय चलता, हात वयर करुन !
आशेची कट्‌टी हातांत धरुनं !!!
कोणूय कितें दीत काय ?
कोणूय कितें घालत काय ?
जाता तिका आस

थोडे उलयतात, थोडे हांसतात,
कोण फकाणां करतात,
कोण भुरगुट्टा कोण खोटो मारता
हाचो फायदो घेत
कोण एका मेकांक किचमितात !!
कसलीं जनावरां ?
कोणाकच खबर ना !!
पूण तिका खबर आसता
या मनाशाच्या हुंवारात ती,
बडयेन पोंवता
पूण कांयच मेळना
दिसता सुक्यांत वच्चें !
ओल्यांत कांयच ना,
मृगजळ तें !!
मतलबी सगळे ?
ती परतता, पूण ?
त्या दर्यांत बडी मोडटा,
ती पडटा, पडटा
आनी
उठचना !!
निमणें उबारतात, तिका लोक ?
खांदो लायत !
खांदो लायत !!

म्हजी नायीका

रुप तुजें कावळ्याचें
धवें करुन गेल्ल्या पुतळ्याचें
कात तुजी याद दिता
खडप दर्यांतल्या मिरामारचें

जेन्ना तूं नदर मारता
उज्या केणां भायर सरतात
काळजां पुराय घायाळ जातात
लासून सामकी गोबोर जातात

जेन्ना तूं हांसप करता
घडघडो भिवन ओगी जाता
दर्या खळखळ शांत जाता
कानाचो पड्डो लेगीत फुट्टा

उतरां तुजी फुलांवरी
सळसळट्या बोमाड्यांवरी
आवाजान तुज्या अचकीत
नाशिल्लो पावस धर्तरी

काळे काळे दोळे तुजे
भुयांरातलो काळोख सो
धवे–धवे दांत तुजे
कोड जाल्लो रोग सो

दुद्यावरी चेरो तुजो
पणसावरी कांटेला

आयाळावरी केसां झोंप
बंटिणी वरी जोंठेला

नाक तुजें शुर्पणकेचें
कान नाजूक सूप शे
जेन्ना तूं शृंगार करता
दिसता भांगरा दुकान शें

पावलां तुजीं खेत्याचीं
चाल तुजी हथयाची
पळोवन काळीज धांपेता
करता याद भूंयकापाची

कोण्यावरी कूड तुजी
माडयेवरी तंवकता
वयेर सुकूंक घाल्लेवरी
शालवासाडी हुबता

पिकिल्लें कणस कशें
तूं जेन्ना लजता
तरुय लेगीत सुकणें
चोंच मारुंक भियेता

अशें तुजें रुप
अशी तुजी अवतीकाय
उतरांच आतां सपल्यांत
फुडली जीण कशी काय ?

जिणेचें मोल

जेन्ना जिणेची सांजवेळ जाता
तेन्ना, फुडाराची पावलां
सर्गाची सपणां चडटात,
अशावेळार
जाता याद अचकीत
म्हज्या उतरांची, रागाची, फुगोवण्याची
दिसता,
कित्याक हांव पयसावलें ?
कोणा नेटार हांव उडटालें ?
मृगजळाचो संवसार हो
हातुतूंच हांव घुस्पतालें !
याद जाता म्हाका तरणेपणाची,
अतृप्त अशा म्हज्या इत्सांची
त्या काळार,
वारें कुडींतल्यान म्हज्या परमळाचें,
भोंवरे उचांबळ जाताले,
म्होंव चोखूंक येताले,
सरभोंवतणी म्हज्या भोंवताले,
त्या वेळार
गर्वान म्हज्या तेंगशी गांठिल्ली,
अप्सरा, मेनकांक, उणी लेकताली,
सोंपून गेल्ले,
हांव हांव म्हणपी,
पुराय पिशे जाल्ले रती, म्हारती
आनी
भंयाकृत हांसयाळें म्हजे चेऱ्याचेर
जैतिवंत जावन मिरयतालें,

पूण, खबर नासलें, तें कांय खिणाचें !
कारण
काळाचें म्हजेर वर्चस्व आसलें
दीस गेले, राती गेल्यो,
सैमात बदल जाले !
दिसलो परिणाम ताचो आरशांत
विचित्र नदरेन म्हाका पळेतालो
वस्त्रां बदल्ली शृंगार बदल्ले
थळां बदल्लीं, राजवाडे लेगीत बदल्ले !!
तेन्ना
सुटलो पीळ बऱ्याच तेंपान,
सूम पुराय लासून गेल्लें,
मिरयेल्ल्या कातींत
दर प्रस्नांची जाप म्हाका मेळटाली,
म्हज्या करणेची !!
आतां खंयतो परमळ ?
आनी ते भोंवरे ?
गर्वाचें पुराय मातयेभरवण जालें
आनी हाय !
तूंच म्हजो फुडार आशिल्लो,
हाचें मोल म्हाका
कशें ना तें कळ्ळें ?
कशें ना तें कळ्ळें ?

निर्माल्य उलयता

तुज्या बगर रावंक जायना, यो रे यो, यो रे यो
आतां आनी सोसूंक जायना, यो रे यो, यो रे यो

पडींग जमीन पिकाळ करुन तूं पासार जाता
मेल्लें काळीज जिवीत करुन तूं नाच जाता
कित्याक तुवें आशा दाखयली ?
कित्याक तुवें सपना दाखयलीं ?
कित्याक तुवें माया दाखयली ?
तुज्या बगर – – – –
जल्मा आयिल्लें फुल हें झाड नाशिल्लें !
भोंवरे, पिसोळीं, लागीं येनात परमळ नाशिल्लें !
कित्याक तुवें गोपांत घेतलें ?
कित्याक तुवें दोळ्यांक लायलें ?
कित्याक तुवें मानान दवरलें ?
तुज्या बगर – – – –
तूं येता तेन्ना चंद्रिम मळबांत उदेता,
तूं हांसता तेन्ना वारो, परमळान भरता
कित्याक तूं येतलो म्हणटा ?
कित्याक तूं आस दाखयता ?
कित्याक तूं विरहांत उडयता ?
तुज्या बगर – – – –
तूं म्हजो आत्मो आतां तूंच म्हजो प्राण,
हीरे माणकां, गुणानी भरिल्ली तूंच म्हजी खाण,
कित्याक येवन उलयना ?
कित्याक तू नदर मारना ?
कित्याक तू हें जिवीत व्हरना ?
तुज्या बगर – – – –

जिवीत केल्ली कूड, वाट तुजीच पळयता,
निर्शेल्ले दोळे, तांक ना, निमणो स्वास घेता,
कित्याक निमणी जाप दिना ?
कित्याक निमणी माया दाखयना
कित्याक निमणे उदक घालना ?
तुज्या बगर – – – –
यम दारार वाट पळयता, आत्मो व्हरपाक रे,
खंयच्यान तरी येवन आतां निमणे दर्शन दी रे,
नाका आनीक आस तुजी
नाका आनीक सपनां तुजी
नाका ती माया तुजी
तुज्या बगर – – – –

अंधस्रध्दा

ुजला आमी फातर गांवचे शिमे भितर
नाक दोळे नाशिल्लो, काळीज मन मारिल्लो
शिमेदेव काय राखण देव, वडावेलो काय पिंपळावेलो
भुमिपुरुस काय गांव पुरुस, बेताळ काय खुटयेवेलो
घालतात गाराणी वेळो काडून, आळयतात ताका मान करुन
पिंजर, नाल्ल, विडो, वात, लिंबू रोंट भरीक घालून
हात जोडप दोळे धांपप, दिमी मारप नाक घस्टुवप
तरुय तो धादोशी जायना, तेन्ना ताका रगत ओपप
कापप बोकडे, रेडे, कोंबे, दिवन बळी मोनजातीचे
शेणान सारयिल्ल्या आंगणांत ताच्या, मागीर अवसरानी नाचपाचें
उपास, आंगोण, सांगणे, मागणे करुन पिळगे पिळगे उध्दार
सांगप रगताचो मान तो, अंधस्त्रध्देन जिवीत करप पिङ्ग्यार
खंती जावन फांटी सरप, उजवाडांत काळोख दिसप
जावन परमाण नाल्लाचेर, फट आशिल्लें खरे म्हणप
झाडो बेतांचो मार खावन लाशिल्ल्या गोबराची बिबूत लावन
फुंकप धुपा धुंवराचेर, नाशिल्लीं कलमां उबी करुन
म्हणप आतां आयलो देव, आयलो देव, कित्याक ना तो कसलो मेळ
उलो हुयली मारुन व्हडल्यो, ताशे धोलांचो करप खेळ
भारार भार वाडत वता, गुरु, पुंडलीक खंकाळ जातात
हां, हां करुन रंभा पडटात, मेल्ले–गेल्ले जागे जातात
हात जोडन षंढावरी, बंदीवान बुदवंत उबे सगळे
लाचार जावन देवांक भाळयतात, दिसतात मानसीक पांगळे
कित्याक हीं पातलां करतात, कित्याक आत्म्यांचो खेळ करतात
गिन्यानी, सज्ञानी आसून तुमी, तुमच्याच भितरल्या देवाक विसरतात

कट कट !

तुमकां कितें खावपाक घालचें,
पिडा फाटीं डझन भर,
खायात म्हजीं हाडां,
दुकरीणीन क्यांच करुन म्हणचें ?
म्हाकाय तें चुकूंक ना,
सात–आठ आसतातूच !
कितलेंय घातल्यार पावना
लाळ गळ्यत पडटातच
बेजार ह्या जल्माचो,
राखण करप काय पोसप हीं ?
म्हाकाच आतां खायात तुमी
गुरुगुरुन कोलान सांगचे ?
कोण मरता काय म्हूण पळयता,
तेन्ना पिंडाचे जेवण मेळटा,
दीसभर जगभर भोंवप
आनी रातची बोब आयकप
आमी जल्माचे काळे
नशिब फुटके रुप नाशिल्ले
क्याँव–क्याँव ह्या चारांचे !
'पाड पडूं' अशे कवळ्यान म्हणचें ?
सगळींच त्रासल्यांत
सगळींच ग्रासल्यांत
जिवीताचे भोग कोणाकूच चुकूंक ना
मना सारकें कांयच घडना म्हूण
आमी पळून वचचें ?

जेन्ना हांवे स्कुटर विकली !

जेन्ना हांवे स्कूटर विकली
तेन्ना
म्हज्या पायांतली हवाच गेली
पिंजिल्ल्या जोत्याक अजाप जालें
आनी
थंयच ताणे देह त्याग केलो
हातांतली शक्तच गेली
मनांतली मती मेली
कुडच पुराय हताश जाली
कितें विपरीत घडलें
या पिरायेचेर ?
याच विचारान कातीचेर आनीक
जाळें वाडलें
शंख, चक्र, गदा, पद्म
आयुध्दांच सगळी झोमून व्हेलीं
सुको सडसडीत पांडवां परी
वनवासी म्हजी दशा जाली
भर लडायेच्या रक्तथळांत
गिळ्ळीं रथा चक्रां धर्तरीन
आनी
दानवीर कर्णावरी म्हजी स्थितीजाली
जशी
मरणान म्हजेर झोंपय माल्ली

जेन्ना हांवे स्कूटर विकली
तेन्ना, धुल्ल खोशी जालो,
उबयत ताका हांव वतालों

आतां म्हाकाच तो लोळयतालो
रस्त्यावेले फातर
गर्वान म्हाका पळयत रावतात
फोंडकुलां हांसतात आनीक तोंडांरुंद करुन
दुःखा घायांचेर मीठ चोळटात
स्कूटर ना तशी, काळ खोशी तालो,
ताचें मुखार धांवपी हांव
आनी आज
पाळी आयली ताचे फाटल्यान धांवपाची !
वाऱ्याक तेन्ना दुस्वास म्हजो
कित्याक ?
वाऱ्या वरचड हांव धांवतालो
आनी आतां,
पयस रावन असो
म्हज्या
हुमे पांवळ्यांचेर हांसता !
मेरे, देगो चलपी पांय
परकी परकी शे डांबरा रस्त्यार
वळखीचे प्रस्न करतात
दुस्मान बऽऽरे हांसतात
वोता तापान पांय
हुलपतात !
ओलसाण, थंडसाण, हरयाळी पळोवन
कडेन चलतात
आनी
अचकीत कलकल्ल्यावरी जाता !
त्याच वेळार बसता धपको नेटाचो
हांव पडटां ! न्हिण्णावतां !!
आनी हय न्हय शी दिशटी पडटा,

जी.ए.ओ.टू चार तीन पाच स
म्हजीच स्कूटर
म्हाकाच रस्त्यार उडोवन
वेगान वता ! वेगान वता !!
आनी उरता
म्हजे दोळ्यां मुखार
फकत धुल्लूच, धुल्ल !!!

शासन

मारात तिचेर फातर, सोडात तिचें बोतर
दिवंक ना न्हिदपा उतर, रातचें घरां भितर

फातर तोच मारतलो, जो मनान पवित्र आसतलो
मन गेलें तेल लायत, शासन तिका जावंक जाय

काडात तिका घरा भायर, काडात तिका गांवां भायर
उगती तिका करपाक जाय, पातक सगळ्यांक दिसपाक जाय

शासन करपी वयर उल्लो, लाळ गळोवपी मुखार सरलो
कोण कोणाक आयकना, गुरवार म्हुण पळयना

आधार सोदपी नदर तिची, प्रलय वासनेन भिवन गली
दुकांचो हुवार पळोवन, धर्तरेन मान सकल घाली

आतां शासन कोणाक करपाचें, कोणाक भायर काडपाचें
म्हगेर यो, तुगेर यो, फ़ाफसून तिका खावपाचें

कितलो अन्याय करतले, कितली विटंबणा करतले
सोंसणुकिची सपली शीम, भिजलें आंग रगतान चिंब

निमाणी उतर दिलें तिणे, रातचें चोरयां येवपाचें
उसंत घेनासतना चोंचूक लागले, सगळे भर दिसाचे

कोणाचेर आतां मारप फातर, कोणाचें आतां सोडप बोंतर
सगळो गांवच एक जालो, सोडून आपलें धोंतर

पावसा पावसा

पावसा पावसा योरे यो
धांवन यो, नाचत यो
येतना आंगणांत म्हज्या
उदकाच्यो धारो घेवन यो

रावतात आमी वांगडा तुज्या
भिजून खेळून नाचपाक
उदकाचो बेगीन हुंवार हाड
व्हडें घेवन भोवंक वचपाक

म्याँव म्याँव मोर करता रानात
डरांव डरांव बेब्यांचे गायन तळ्यांत
किर्र किर्र रात किडयो करतात झोपांत
चम चम काजुले चमकता मळबांत

उमेदीन सगळी भुल्लुसल्यांत
अचकीत तुज्या येण्या नेटान
चातकाचें रडप थांबय मात्शें
तुज्या शितळ अेकाच थेंब्यान

भागय तान धर्तरेची
सैमाचें कर पांचवे रान
फुलां–फळां सगळ्यांक मेळूं
फुलय झाडां पानान–पान

नशा

न्हय ती नशा मदिरेची
न्हय ती नशा धुंदीची
नशा ती जुवानपणाची
हुंवार आयिल्ल्या यौवनाची

रंगतात कशे ओंठ आज
पान चुनो नासतना
मयूर पाखांवरी कशे
हात कुडीर भोंवतना
शिरशिरी संचार आंगांत भरता
जेन्ना स्पर्ष तुजो जाता
तुज्यांतल्या हून स्वासान
म्हजेंच हांव पिशें जाता

मैफल रंगता रंगम्हालांत
दोळे सगळ्यांचे थिरावतात
तानेल्ले सगळे सालांत जमतात
म्हाका रोखडेच पिवन घेतात
वस्त्रां भितर स्पर्ष जाणवता
परकी वासनेच्या दोळ्यांचे
तेन्ना याद तुजी मोगा
दुखोवन काळीज सगळ्यांचे

उचांबळ जाता प्रेम म्हजें
प्रत्येक कुडींत तूंच दिसता
पायजणां कोण बांदून वता
आनी तूं कसो आदार दिता
गान कलेचेर फिदा तूं
कोठेक मंदीर समजता तूं
धन्य जाली जीण म्हजी
येदो व्हड मान दिता तूं

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
1168

न्हीद बाळका

न्हीद न्हीद बाळका आतां
रडूं नाका रे म्हाज्या बाबा
सूर्यदेव दर्यांत लिपलो
तूंच कित्याक जागता

न्हीद – – – –

देवळा सोणयेर नबत जाली,
तुळशी पेडार वात पेटली
लामण दिव्यांच्या उजवाडांत
परवच्या सांगून भुरगी गेलीं

न्हीद – – – –

सुकणीं सावजां घरा परतलीं
हुस्क्या मेकळीं आड पडलीं
रातराणी राज करपाक
परमळ घेवन ल्हवूच आयली

न्हीद – – – –

पुनवेचो चंद्रीम माथ्यार आयलो
झाडार सुकेण्यो पार जालो
शांत शितळ वात येवन
न्हऱ्यांत तुज्या चवरुंक लागलो

न्हीद – – – –

देवा रावतां हांव

आतां ना कसली चिंता
आतां ना कसली खंता
कूडच म्हजी जीर्ण जाल्या
रावता हांव म्हज्या अंता

जिवीत भर सेवा केली
मागून मागून जीब झल्ली
ना ती दृष्ट कृपेची तुजी
ना ती तुजी प्रिता
देवा रावता हांव

सपन सुखा नित्य पळयलें
दुकांनी तुजे पांय धुले
ना तो तुका पाझर फुटलो
लायलो कसो तो पंता
देवा रावता हांव

जिवीत यातनो सपतां सपतां
ना तें दुशण कोणाक नाथा
भीक निमणी घाल ती हातां
कर ह्या आत्म्या मुक्ता
देवा रावता हांव

एक फूल

म्हजे गोपांत यो, पयस पयस अशें रावं नाका,
तूं एक फूल सोबीत आसा,
गोपांत म्हज्या सोबून दिसता

तूं उडटा सुकण्यापरी, चड वयर उडूं नाका,
तूं धावता हरणापरी, चड बेगीन धावूं नाका
तुका मारीत उडटना, तूं पडत धांवतना
आतां कितेंय घडटा गो चलताना

तूं मोग म्हजो करता अशें, चिटीर तुवें बरयलां,
तूं मोग म्हजो करता अशें, तोंडान कित्याक सांगना
चीट म्हाका वाचूं येना, चीट म्हाका बरोवं येना,
आतां रावंक कशें म्हज्यान जायना

वाट !

अुल्लां आतां कितें सांगपा सारकें ?
अुल्लां आतां कितें आयकपा सारकें ?
सगळींच सपनां मातयेंत मेळ्ळीं,
कांयच ना आतां जगपा सारकें ?

पीत आसता दुकां तुज्याच यादीन
अर्थ ना आतां प्रेमाच्या काणीन
ल्हायो जाता यादिनी तुज्या
पेट्टा उजो विरहान तुज्या

अश्या वेळार बरयता तूं
उतरां तुजी विखानी भरिल्लीं
तींच तुका भेटोवंक सोदता
पूण शेणतात परती परतीं जमयिल्लीं

जाणा हांव आयज सूर्य उदेचो ना
जाणा हांव आयज चंद्र दिसचो ना,
तरुय आशेक कोंब येता
आनी वाट पळयत हांव कित्याक बसता ?

मोग तुजो

मोग तुजो हांव करता
काळजांत म्हज्या दवरतां
केन्नाच तो सोडचो ना
उतर तुका हांव दिता

तुजो मोग म्हळ्यार म्हाका
जिणेची आस आसा
उतरां तुजी मोलादीक
जिणेचें किर्ण आसा

उचांबळ हांव यादीन तुज्या
उचांबळ हांव मोगान तुज्या
तूंच म्हळ्यार हांव म्हजो
म्हजे भितरलो तूंच हांसो

मोगाचो जर विसर पडत
संवसार सगळो पेटयतलो
तूं जर ना जाल्यार
देवाकडेनूय झगडटलों

इतलो अखंड मोग म्हाका
नशिबानच दिल्लो आसा
समाप्ती ताची नाच केन्ना
संजिवनीन तो भरिल्लो आसा

काळजाचो कुडको

काळीज म्हजें उमेदीन, कित्याक कोणाक लागून
धडधडटा कशें आज, कोणाच्या यादीन
फडफडट्टा म्हजी आज पापणी दोळ्याची
जाता याद म्हाका म्हज्या काळजा कुडक्याची

दरवंट्यार उचांबळ उबे म्हजे दोळे
म्हज्या खऱ्या मोगाची कशी वाट पळे
कसो ताका येवकार दिवं, कसो ताका गोपांत घेवं
ना थाऱ्यार जीव म्हजो, दिसता केन्ना पळोवं

चंदनाचें तेल लावन, सुगंधी न्हाण घेवन
काजळान दोळे भरुन, श्रृंगारान सजून
वळेसर जाय–जुयांचे, लांब केसांचेर
हात्याचो एक पुडो हळडुवोच ताचेर

चंद्रावरी रुप ताचें, सूर्यावरी तेज ताचें
मदनाचोच पुतळो तो, कितें वर्णन ताचें
परमळान कशी आज, सजल्या कूड शृंगारान
येवन तो दारांत केन्ना वाट पळयता मोगान

पिशें काळीज

काळीज हें पयलेच खेपे, मोगान पिशें तुज्याच गो,
दिसता आतां, निळ्या मळबांत, पांखटां लावन उडचें गो,
आसा जाल्यार यो तूं ऽऽऽ खंयूय आसल्यार यो तूं
म्हज्या मोगा यो तूं, गोपांत म्हज्या यो तूं

कितलें सांगलें काळजाक, मोगांत तूं पडू नाका
मोग न्हयतो रोग तो, फांटल्यान बेठें धावं नाका
कशेंच तें आयकना, म्हणटा रावंक जायना
मोगांत आपूण पडलां, सुटका आता जावची ना

पिशें जाल्ल्या काळजाक, कोणाची सांगणी नाका
सपनातल्या मोगाची, कित्याक आस ताकां
वेंगेत घेवंक आंवडेता, मोगाची तान ताका
कितेंय जांव आता, परवा कोणाची ताका ?

व्हडें जिवीताचें

ताण रे व्हडें जिवीताचें, संवसाराच्या दर्यातल्यान
आपलें नशीब थारावपाचें, सामकार आशिल्ल्या उज्यांतल्यान

घडिल्लें सगळें फाटीं गेलें,
आतां उस्तून फायदो ना
भविश्य मुखार रावता तुका
चुकना असो हांगा कोण ना

जायना अशें म्हणप ना
मनीस जातीक तर सोबच ना
यत्नांतूच जैत मेळटा
देवाचेर भार घालप ना

जिवीत आमचें सर्त कशी
दुकांक हांगा मोल ना
पावला पावलाक कठीण घाटी
निरास केन्ना जावप ना

कश्ट हें जीवीत आमचें
कश्ट देवाचें रुपडें
कश्ट हें सत आसा
कश्टातूंच कसब आसा

पयली रात

पुनवेचो चंद्रीम उफेता मळबांत
रुप्याचो रंग फाकीत सगळ्याक
नीळें काळें रुप सोबीत सैमाचें
वारें व्हांवता शितळ परमळाचें

शांत उबी झाडां रुशींवरी
गायन घुघूमाचें ताल धरी
"कल कल" सुकण्या पारांचो
शांत सैमांत रंग भरी

माथ्यार नकेत्रां चकचकतात
काळखां वांगडा झगडटात
मदींच धव्या कुपां मदीं
चंद्रीम आपा–लिपा खेळटा

ल्हारां न्हंयची खळखळ्टात
जागयतात धर्तरेर जीव–जिवाळ
दिसता सैमाची पयली रात
रातराणी करता आनीक म्होंवाळ

मोगाचें थळ

हेंच ते थळ गो, हेंच तें मळ गो
तुज्या मोगाच्या यादिचें देवूळ गो

हेंच तें थळ रे, हेंच तें मळ रे
तुज्या मोगाच्या यादिचें देवूळ रे
।।धृ।।
तुज्या सांगातान ऋतु कितले पळयले
सर्ग सुखा कय आमी भाळयले
सांगातान सपनां कितली रंगयलीं
सप्तरंगी रंगानी रंगून गेल्लीं
हेच तें काळीज गो, हेच तें प्रेम गो,
तुज्या मोगाच्या ।।१।।
मिलन आमचें पळोवन सैम फुलतालें
परमळान विस्व भरुन वतालें
पिशावरी हांव भेटूंक तुका येतालों
गोपांत तुज्या संवसाराच्यो खंती विसरतालों
होच तो आनंद रे, मोगाचो गंध रे
तुज्या मोगाच्या ।।२।।
पवित्र मोग आमचो सासणांत उरतलो
दर एकल्याचें काळीज उमेदीन भरतलो
जरी दोन काळजां एक ती आमचीं
अखंड उरतलीं ना केन्ना तुटचीं
हेंच तें उरत गो, हेंच खरें सत गो
तुज्या मोगाच्या ।।३।।

ख्यास्त

जगता हांव दुःख सोसूंक
जी अपेक्षा तुवें ना करुंक,
त्या पातकाची शिक्षा म्हाका
भोगता तितली उणी आसा

म्हज्या श्वासांतल्यान येतलें
तुजेंच नाव उच्चारिल्लें,
म्हज्या सामकारा उरतली
तुजीच मूर्त निर्मिलेली

तुका सदांच दुःख दिलें
पाषाणाचे कुडके खावयले
विसर ताचो केन्नाच पडपाना
केन्नाच म्हाका क्षमा करपाना

तुवें म्हाका सुख दिलें
तुजें अशें म्हाका अर्पिल्लें
एकाच घायांत सपयलें
जीवीत भर तुका बेश्टें रडयलें

खोस

खोस आयज लजत मोडत,
अचकीत घरांत भितर सल्ली
दोळे म्हजे पळयत उल्ले (२)
दारां जनेलां अजापीत जालीं

न्हिदांत आसलीं गात्रां सगळीं
सपन खोशेचें पळयतालीं
न्हीद तांची उडून गेली
मुखांमळां हांशान भरुन आयलीं
खोस – – –

सदांच सूर्याक लागपी गिराण,
किरणां उजवाडाक आशेताली,
चंद्रिमावरी खोशे आशा,
पावसा कुपांत लिपून गेल्लीं
खोस – – –

सार्थक जालें म्हज्या जल्माचें
वाट पळयिल्ल्या तपश्चर्येचें
दीस सपले, वर्सां सपलीं
जालें भांगर म्हज्या कर्तुबाचें
खोस – – –

मनातलें

सगळें मनातलें तशेंच उरुन गेलें
सपनांची माती पळोवन, काळीज दुकानी रडलें

जल्मां येतांच नशीब फुटलें
हात लायिल्लें मातये जालें
निर्शेणी, निर्शेणी पावला पावला
मोडक्या खुरसाचें रुप जालें
सगळें – – –
मान अपमान उरुंक ना
मनीस जल्म पूण सावजूय ना
म्होंवाळ उतरां करुन पळयलीं
स्वभाव रुपां बदलून दाखयलीं
तरुय मनातलें – – –
रंगयलें कितें आनी रंगलें कितें
सुखाचें साल केलें रितें
जगून जगून फक्त मरण पळयलें
मनांतलें ओंठार ना तें आयलें
आनी मनातलें – – –
बंद जाली दारां आशेचीं
न्हीद गेली दोळ्यां सपनांची
निरास काळीज संपिल्लें मन
आतां खंत कसल्या खिणांची
आनी मनातलें

उजवाडाचें किर्ण

वात पेटली जिणेची
धायी दिको पर्जळ्ळ्यो
गुपाट काळोख नश्ट जालो
जिणेक नवो कोंब फुटलो

कळनासतना कोंबा रुख जालो
फुलां–फळानी पुराय भल्लो
शितळ छाया शांत वात
गायन सुकण्यांचे दीस–रात

गेल्ले म्हजे परतले सगळे
मांय पाशांत घुसपले पळे
हाजीच वाट पळयताले दोळे
सुकून गेलें दुकांचे तळें

सपना रेवेंतली घेतात आकार
दुःख पयसावन जातात साकार
भूत–भोगाची ना ती चिंता
भविष्याची आतां कित्याक खंता

खंयच्या पुण्यतायेचें फळ मेळटा
दैवच कशें फळफळटा
हेंच समाधान ह्या खिणांक
दिवया येवकार उजवाडाच्या किर्णांक

सुखाचो दीस

सुखाचो दीस रे म्हजो
खंय तरी शेणला
दुकांचे घोंट रे पिवन
हांव पुराय थकला
आसत कोणी, मारीत उलो, आशेन हांव रावलां

खंयच्या पापांचे भोग हे
खंयच्या जल्माचें देणे हें
कोणाक तो दोश दिवचो
विवंचनेत ह्या पडला
सुखाचो – – –
चुकलां कितें सांगचे जनान
घात केल्लो कोणा, सांगचे देवान
सोसूंक ना जावन, मागता मरण
ते हूंय दारा भायर रावलां
सुखाचो – – –

उजवाड जिवीत

जीण म्हजी एका सुकण्यावरी
मळबांत वयर उडपाची
पायण्यातले दीस सपले म्हजे
आस चंद्रार वचपाची

म्होंवाळ घर हें संवसाराचें
आसा दार उगतें कर्तुपाचें
विसरत दीस सानपणाचे
विसरत दीस आवय पालवाचे

घेवन मात्यार आयज भार
दिवचो विस्वाक नवो आकार
जिवीतांत या दाखोवन दिवन
करचो फाल्यांचो नवो संवसार

कश्टाचें मोल एक दीस तरी
चमकतलें नशीब केन्नाय तरी
येतली सकाळ नवी नाचत नाचत
जिवीतांत उजवाड फांकत फांकत

मेळटली वाट लागींच आसा
अित्सा आजुनूय ताजी आसा
उमेदीचे ऋतु सदांच फुलतले
जोमेरेन कुडींत जीव आसा

ना जाल्यार

दिसता म्हाका तूं मोग म्हजो करता,
सांगूक हें म्हाका तूंच भियेता
ना जाल्यार हांसचें नासलें तूं
लजचें नासलें तूं, हांगा येवचें नासलें तूं

रुप तुजें हांव सपनांत पळयतां
म्हऱ्यांत येवन तुका गोपांत घेतां
मोग म्हजो तुज्या काळजांत आसा
म्हजी ओड तुका आसा
दिता दर्शन सपनांत तूं
ना जाल्यार....
पयल्याच नदरेंत मोगांत पडलें
ना ना म्हणत तूं लागीं लागीं पावलें
फाटीं फुडें जाता कित्याक
वेळ पिड्ड्यार करता कित्यात
तिरशी नदर मारता तूं
ना जाल्यार......
हय तूं म्हणत जाल्यार
सुखान पुराय न्हाणयतां
काळजाच्या कुडक्यावरी
सांभाळ तुजो करता
सुखा म्हज्या यो गो
मोगा म्हज्या वेंगेत घे गो
काळजाक घाये दिता तूं
ना जाल्यार......

काळीं कुपां

काळीं काळीं कुपां मळबांत
आपा लिपा खेळटात
गडगड करुन, जोगलां दाखोवन
व्हडलो बोवाळ करतात

वादळ वारें सुट्टा तेन्ना
झाडां–पेडां हालतात
माड–माडयो बागोवन
पावसाक येवकार दितात

सुकिल्लें वाऱ्यार हुबता
धुल्लाचे लोट जमतात
वावटळेचो भोंवरो पळोवन
पोरां उमेदीन नाचतात

सवणीं, सुकणीं, गोरवां, कुकडां
धावन घरा येतात
भितोडे, खाचींनी उबी रावन
आंग निवळ करतात

पावसाक लागून शाळेची
घांट बेगीन वाजता
पाटयो माथ्यार मारुन भुरगीं
किंळाच्यो मारीन धांवतात

चोंय वटेन उदक पळोवन
सगळीं अजाप जातात
उबाळ पळून गेला म्हूण
उमेदीन सगळीं नाचतात

व्हाळ, न्हयो, शेंता, तळीं
उदकान भरुन वोततात
पावसा येण्यान धर्तरी
कशी पाचवीचार जाता

दामोदरा देवा

जय जय दामोदरा देवा, जय जय दामोदरा देवा
तुज्याच थळांत आमी रावतात
आमकां तुमी पावा ऽऽऽ (२)
जय जय

ताळ, मृदंग घेवन हातांत
भक्ती भजन करतात
भस्म चंदन लावन काये
तांडव नृत्य करतात
जय जय – – –

जटाधरी तूं नटराज तूं
म्हादेवा मंगेशा
पार्वती पती तूं, गणापिता तूं
निळकंठ शिवा (२)
जय जय – – –

नाम जाप तुजो रात दीस म्हजो
चालू अखंड मुखां,
कूड थकली, जीण सपली
दर्शन दी देवा (२)
जय जय – – –

कर्तुप जाप !

मरना कित्याक आतां
संवसार सगळो चिंतेंत आसा,
आपलीं सगळीं हुस्केतात
दुस्मानूय आंवडेता

जिवीत मडें उबें आडवें
सांसणाच्या कर्तुपानी झडून गेल्लें,
मांस हाडां हांगा थंय
अजापान पळोवचेलें !

पळोवन तोंडार मिरी घालून
हांसपाचो आव हाडटात
पूण काळजांत खंयतरी तांच्या
दुःखाचें एक दूक गळटा

कित्याक आतां सासपितात हाडां,
कित्याक आतां बोबो हुयेली,
सपचो म्हूण तुमीच झगडले
नाचताले सगळे भुतांपरी

आतां पेटयात दिवे, जागयात राती
करात दबाजे हांव मेला म्हूण !
कळीत करात संवसाराक ह्या
बरें केल्यार अशें भोगता म्हूण !!

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001595

जिवीत भोग

तुका नाका जाल्यार, हांव सोडून वता
याद आयली जाल्यार, हांवच म्हाका सपयतां

बटीक म्हूण वागयलें, व्हाण म्हूण झरयलें
दुकांचे घोंट पिवयत जिवीत भर रडयलें

कपळाक पिंजर लावंकना, आंगार फाळी दवरुंकना
हाडान हाडां मोडून म्हजी, रगत तुवें गोठयलें

तुज्याच मोगाक भुलून हांव, सगळें सोडून आयिल्लें
घात म्हजो केलो कित्याक, सगळेंच तुका अर्पिल्लें

अितलें सोसून रावता हांव, वच म्हूण तूं सांगना
याच उतरांक लागून तुज्या, हुंबरो हांवे हुपूंक ना

कितें घडटा ?

सत्याची संजिवनी पिवन मरपाक बाबडे तेंकतात
अन्यायाचें रगत पिवन कांय दुकर कशे माततात

घोट भर गंगाजळ पिवन कोण पवित्र जाता
'कोपभर' इल्लें मारुन देवाक प्रसन्न करतात

जैतिवंताच्या मुळांत दुडवां राशी
एक वेळा जेवणाक रुपयो कमरा कुशी

संवसांरातली पुस्तकां शिकून सगळे गाढव जातात
आनी बोट मारपी आज राज्य चलयतात

मूंय माल्ली जाल्यार फांशिची शिक्षा जाता,
पोटांत सुरी घालपी शिळोणी घालीत भोंवता

रडपाखातीर हांगा फुकट शिक्षण मेळटा
हांसपाचे जाल्यार हांगा सरकारी दाखलो लागता

आत्महत्येच्या मड्यार न्यायालय झगडटा
संद साधपी ताचेर वडे भाजून खालात

देंवचाराचे दुनियेंत आमीजीण जगतात
वता तो दीस बरो समजून समाधान करतात

घुस्मटिल्लें जिवीत

नाका आतां ती संजिवनी जिणेची,
तृप्त जाली सपनां, इत्सा ना कित्याची

सुख मळबावरी, दुःख दर्यावरी
पायां पोंदची धर्तरी केन्नाच सरली
काळखाचेर राज्यकरपी, आशिल्ली दिवाळी
फूंक ती माल्ली कोणे, जिणे केली काजळी

जैता परस हाराचो, वांगड तेन्ना उर्बेचो
घेतलो लाव संधीचो, घांत करुन काळजाचो
सत्याफांटल्यान धांवलो, विस्वास ना कोणे केलो
पिसो म्हूण बिरुद दिवन, एका दिसा भिके घालो

अर्थचो अनर्थ केलो, उतरांचो खेळ केलो
सुखाच्या वज्याचो, दुकांचो भार केलो
निमणें सगळ्यांक पटलें, मोल उतरां कळ्ळें
कित्याक तें सगळें आतां, जिवीतूच घुस्मटिल्लें

विश्व कोंकणी केंद्र • WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY •
1168

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: मंथन
Mantan

YEAR: 2007

AUTHOR: Milind Harishchandra

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

c. No. ______________

Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.

Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN



वळख
जल्म गांव : काकोडा, गोवा
पेशा : शिक्षक,
फाटल्या तीस वर्सांसावन
विद्यादानाची सेवा करता,
सद्या सेंट अण्ड्रयुज इन्स्टिटट्यूट - वास्को या हायस्कुलांत शिकयता.

पत्तो : हेलेना अपार्टमेंट, सी-३,
तिसरी माळी, स्वतंत्रपथ,
वास्को-द-गामा, गोंय.
पी. को. क्र. ४०३ ८०२
फोन : ०८३२-२५१७६५२

मिलिंद हरिश्चंद्र काकोडकार

ताच्या कवितेचीं आशयसूत्रां समकालीन वृत्तीप्रवृत्तींतल्यान निर्माण जाल्यांत. समाजांत, दोळ्यांमुखार जे कितें बरेंवायटघडटा तें ताळो फुलोवन तो सांगपाक सोदता. कांय अणभव ताचे स्वतःचेच आसात हातूंत दुबाव ना. ताची कविता म्हणचे अणभवांची आंतरीक अभिव्यक्ती.

वैचारीक कवितेचे आव्हान तो सहजतायेन झेमताना दिश्टी पडटा.

समाजांतल्या नैतीक मुल्ल्यांचो जावपी नाश, मनशाच्या सभावांतली क्षुद्रताय, मनीसपणाची शेणिल्लीं रुपां आनी मुखामळां ताका अस्वस्थ करतात.

मिलिंदान आपल्या 'मंथन' ह्या पयल्याच काव्यझेल्यांतल्यान वाचप्यांक खूब कितेंयतरी दिलां. वाचपी ताच्या कवितेचेर आपापल्या परीन मंथन करतले आनी तो आपणालो काव्यप्रवास वेगळे वाटेनूच करतलो हातूंत दुबाव ना.